# कोंकणीची कारवारी बोली: एक भासविज्ञानीक अभ्यास

**(Konkanichi Karwari Boli: Ek Bhaasvidnyaanik Abhyas)**

A Dissertation for

Course code and Course Title: KON-650 Dissertation

Credits: 16

Submitted in partial fulfilment of Masters Degree

MA in Konkani

by


**Mr. Vaibhav Vinod Majalikar**

Seat Number: 22P0180036

ABC ID: 599509249918

PRN: 201904079


Under the Supervision of

**Dr. (Ms.) Ramā Murkunde**


Shenoi Goembab School of Languages and Literature

Discipline of Konkani

**Goa University**


**April 2024**

# कोंकणीची कारवारी बोली: एक भासविज्ञानीक अभ्यास

## (Konkanichi Karwari Boli: Ek Bhaasvidnyaanik Abhyas)

A Dissertation for

Course code and Course Title: KON-650 Dissertation

Credits: 16

Submitted in partial fulfilment of Masters Degree

MA in Konkani

by


**Mr. Vaibhav Vinod Majalikar**

Seat Number: 22P0180036

ABC ID: 599509249918

PRN: 201904079


Under the Supervision of

**Dr. (Ms.) Ramā Murkunde**


Shenoi Goembab School of Languages and Literature

Discipline of Konkani

**Goa University**


**April 2024**

Examined by: Seal of the School

# DECLARATION BY STUDENT

I hereby declare that the data presented in this Dissertation report entitled, 'कोंकणीची कारवारी बोली: एक भासविज्ञानीक अभ्यास' is based on the results of investigations carried out by me in the Discipline of Konkani at the Shenoi Goembab School of Languages and Literature, Goa University under the Supervision of Dr. (Ms.) Ramā Murkunde and the same has not been submitted elsewhere for the award of a degree or diploma by me. Further, I understand that Goa University or its authorities will be not be responsible for the correctness of observations / experimental or other findings given the dissertation.

I hereby authorize the University authorities to upload this dissertation on the dissertation repository or anywhere else as the UGC regulations demand and make it available to any one as needed.

Mr. Vaibhav Vinod Majalikar
Seat Number: 22P0180036

Date: 15 April 2024
Place: Goa University

## COMPLETION CERTIFICATE

This is to certify that the dissertation, **'कोंकणीची कारवारी बोली: एक भासविज्ञानीक अभ्यास'**, is a bonafide work carried out by **Mr. Vaibhav Vinod Majalikar** under my supervision in partial fulfilment of the requirements for the award of the degree of **Master of Arts** in the Discipline of Konkani at the Shenoi Goembab School of Languages and Literature, Goa University.

Dr. (Ms.) Ramā Murkunde

**Discipline of Konkani**

Date: 15 April 2024

GOA UNIVERSITY SHENOI GOEMBAB SCHOOL OF LANGUAGES & LITERATURE TALEIGAON PLATEAU

School Stamp

Prof. Anuradha Wagle

Dean, Shenoi Goembab School of Languages and Literature

Date: 15 April 2024

Place: Goa University

# प्रस्तावना

‘कोंकणीची कारवारी बोली: एक भासविज्ञानीक अभ्यास’ हो कोंकणीचे कारवारी बोलयेचेर भासविज्ञानीक नदरेन केल्लो पयलो वयलो वावर आसा. कोंकणीची कारवारी बोली प्रमाण कोंकणी परस कशी आनी कितली वेगळी आसा हें जाणून घेवप हो ह्या सोद वावराचो मुखेल उद्देश.

प्रस्तूत सोद वावर स प्रकरणांनी विभागला. पयल्या प्रकरणांत; विशयाची प्रस्तावना, हेतू, आवाठ, मर्यादा, संशोधन पद्दती तशेंच प्रकरणांची मांडणी नमूद केल्या. दुसऱ्या प्रकरणांत, कोंकणी बोलयां विशीं थोडक्यांत म्हायती दिल्या तशेंच कारवार वाठाराचीय वळख करून दिल्या. तिसऱ्या, चवथ्या आनी पांचव्या प्रकरणांत स्वनीमविचार, पदविचार आनी वाक्यविचार ह्या व्याकरण विचाराच्या फाट्यांची संकल्पना समजून कारवारी कोंकणीच्या संदर्भांत तांचे वर्णन आनी विश्लेशण देखी सयत केलां. जाल्यार सव्या प्रकरणांत, पुराय अभ्यासाचो समारोप आनी निश्कर्श रितसर मांडला.

हे प्रबंधिके वरवीं वाचप्यांक कारवारी बोलयेची वळख जातली. तातूंतलीं खाशेलपणां आनी वेगळेपणां स्पश्ट जातलीं. तशेंच ही प्रबंधिका कारवारी बोलयेच्या व्याकरण विचाराच्या फांट्यांचेर आनीक खोलायेन अभ्यास करपाक आदाराची थारतली.

# उपकार

'कोंकणीची कारवारी बोली: एक भासविज्ञानीक अभ्यास' हो सोद वावर सादर करतना म्हाका खूब खुशालकाय भोगता. प्रस्तूत वावर मुखार व्हरपाक म्हाका खूब जाणांचो हातभार लागलो देखून तांचे सगळ्यांचे हांव काळजांतल्यान उपकार मानतां. सगळ्यांत पयलीं म्हाका ही संशोधन करपाची संद दिल्ले खातीर गोंय विद्यापीठाक चडांत चड देव बरें करूं म्हणटा. गोंय विद्यापीठाचे कुलगुरू, सि. प्रो. हरिलाल मॅनन तशेंच कुलसचीव, सि. प्रो. व्ही. एस. नाडकर्णी हांकांय हांव दिनवासतां.

गोंय विद्यापीठाचे शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशालेची अधिश्ठाता, प्रो. अनुराधा वागळे, उप-अधिश्ठाता, प्रो. वृशाली मांद्रेकर आनी संशोधना खातीरचे उप-अधिश्ठाता, डॉ. प्रकाश पर्येंकार हांकां देव बरें करूं म्हणटा. महाशालेचे कोंकणी अध्ययनशाखेचे संचालक, डॉ. हनुमंत चोपडेकार हांचें सहकार्य उर्बा दिणें आशिल्लें देखून तांचोय हांव खूब आभारी.

म्हज्यांत संशोधनाची आवड निर्माण करपाचें श्रेय हांव म्हजी मार्गदर्शक, डॉ. रमा मुरकुंडे हांकां दितां. प्रस्तूत सोद वावर योग्य रितीन फुडें व्हरपाक तिचो भरपूर हातभार लाबला. तिचें हें उपकार मानपाक उतरां लेगीत कमीं पडटात. म्हाका सदांच फाटबळ दिवपी म्हजीं आवय बापूय

श्री. विनोद चु. माजाळीकार आनी श्रिमती वंदना वि. माजाळीकार आनी भयण, वैशाली आ. सैलकर हांचो हांव भोव उपकारी आसां.

तुस्त तोखणाय करपी म्हज्या सगळ्या इश्टांचें आनी वासपूस करपी हेर मोगाळ घरच्याचें हांव उपकार आठयतां. प्रत्येक मुलाखत दिवप्याक लेगीत हांव मनांतल्यान देव बरें करूं म्हणटां. तांचो सहकार खूब मोलाचो आसा. तशेंच शिक्षक वर्गाक आनी कर्मचारी वर्गाक लेगीत म्हजो खास दिनवास.

सगळ्यांत व्हड उपकार मानपाक जाय तो म्हणल्यार देवांचो. तांच्याच आशिर्वादाक लागून आयज हो सोद वावर फळाक पावला. तेच बरोबर हांव म्हजे कारवारचे भुंयेक आनी कारवारकारांक नमन करतां आनी हो सोद वावर, म्हजी अस्मिताय दाखोवपी, कारवारी बोलयेक आदरान ओंपतां.

कु. वैभव विनोद माजाळीकार थळ: गोंय विद्यापीठ

# तकटे


| तकटो क्र. | माथाळो | पान क्र. |
|---|---|---|
| 3.1 | फुडलो स्वर | 24 |
| 3.2 | मदलो स्वर | 25 |
| 3.3 | फाटलो स्वर | 25 |
| 3.4 | धांकते स्वर | 26 |
| 3.5 | उक्ते स्वर | 26 |
| 3.6 | धांकते-उक्ते स्वर | 27 |
| 3.7 | वांटकुळे स्वर | 28 |
| 3.8 | सादे स्वर | 28 |
| 3.9 | स्पोटीं व्यंजनां | 29 |
| 3.10 | घांसडीं व्यंजनां | 30 |
| 3.11 | अनुनासीक व्यंजनां | 31 |
| 3.12 | स्पर्श-संघर्शी व्यंजनां | 31 |
| 3.13 | पार्श्वीक व्यंजनां | 32 |
| 3.14 | कंपनयुक्त व्यंजन | 33 |
| 3.15 | अर्दस्वर व्यंजनां | 34 |
| 3.16 | व्यंजन संधी | 34 |
| 3.17 | अनुस्वार | 35 |
| 3.18 | वचनांत अनुस्वार | 36 |
| 3.19 | लिंगांत अनुस्वार | 37 |

| | | |
|---|---|---|
| 3.20 | क्रियापदांत अनुस्वार | 37 |
| 3.21 | सर्वनामांत अनुस्वार | 38 |
| 3.22.1 | अल्पप्राण-म्हाप्राण | 39 |
| 3.22.2 | अल्पप्राण-म्हाप्राण | 40 |
| 4.1 | निमण्या स्वर आनी व्यंजनाचें गळप | 43 |
| 4.2 | पुरूश सर्वनाम- पुरूशलिंगी | 45 |
| 4.3 | पुरूश सर्वनाम- स्त्रीलिंगी | 46 |
| 4.4 | पुरूश सर्वनाम- अलिंगी | 47 |
| 4.5.1 | दर्शक सर्वनाम | 48 |
| 4.5.2 | दर्शक सर्वनाम | 48 |
| 4.6 | संबंदी सर्वनाम | 49 |
| 4.7.1 | प्रस्नार्थी सर्वनाम | 50 |
| 4.7.2 | प्रस्नार्थी सर्वनाम | 50 |
| 4.8.1 | सर्वनामांक लागपी वेगळें कूस | 51 |
| 4.8.2 | सर्वनामांक लागपी वेगळें कूस | 52 |
| 4.8.3 | सर्वनामांक लागपी वेगळें कूस | 52 |
| 4.9 | कृदंत | 53 |
| 4.10 | पुरूशलिंगी नामाचें भोववचन | 54 |
| 4.11.1 | स्त्रीलिंगी नामाचें भोववचन | 55 |
| 4.11.2 | स्त्रीलिंगी नामाचें भोववचन | 55 |
| 4.11.3 | स्त्रीलिंगी नामाचें भोववचन | 56 |
| 4.12 | ‘वि’ ते ‘इ’ बदल | 57 |

| | | |
|---|---|---|
| 4.13 | एका परस चड अर्थ आशिल्लीं उतरां | 57 |
| 4.14 | हेर भासांतली उतरावळ | 58 |
| 5.1 | सादीं वाक्यां | 62 |
| 5.2 | संयोजक जोड वाक्यां | 62 |
| 5.3 | विरोधदर्शी जोड वाक्यां | 63 |
| 5.4 | पर्यायदर्शी जोड वाक्यां | 64 |
| 5.5 | परिणामदर्शी जोड वाक्यां | 65 |
| 5.6 | मिश्र वाक्यां | 65 |
| 5.7 | हयकारी वाक्यां | 66 |
| 5.8 | न्हयकारी वाक्यां | 66 |
| 5.9 | हयकारी प्रस्नार्थी वाक्यां | 66 |
| 5.10 | न्हयकारी प्रस्नार्थी वाक्यां | 67 |
| 5.11 | आज्ञार्थी वाक्यां | 67 |
| 5.12 | उमाळीं वाक्यां | 68 |

# रेखाचित्र



| रेखाचित्र क्र. | माथाळो | पान क्र. |
|---|---|---|
| 2.1 | कारवार वाठाराचो नकसो | 16 |

# सारांश

कोंकणी ही भारतीय आर्य भाशेकुळांतली भास. तिका स्वतंत्र भास म्हण साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळ्ळया. तशेंच भारतीय संविधानाचे आठवे वळेरेंत लेगीत तिचो आस्पाव आसा. तिच्यो कितल्योश्योच बोलयो आसात. तातूंतल्या कांय बोलयांचेर आतां म्हणसर भासविज्ञानीक नदरेन अभ्यास जाल्लो आसा पूण कोंकणीचे कारवारी बोलयेचेर अजून मेरेन तसो अभ्यास केल्लो ना देखून प्रस्तूत सोद वावरा वरवीं तो करपाचो प्रयत्न केला. तो करपाक वेंचीक गांवांची निवड केल्या. ह्या सोद वावरा खातीर तुलनात्मक आनी वर्णनात्मक संशोधन पद्दती आपणायल्ल्यो आसात. तशेंच प्रत्यक्ष मुलाखती घेतल्यात आनी सदच्या उलोवपांतल्यान केल्ल्या निरिक्षणांचोय आदार घेतला. प्रस्तूत प्रबंधिकेंत कारवारी बोलयेची प्रमाण कोंकणी कडेन तुळा करून स्वनीमविचारांत, पदविचारांत आनी वाक्यविचारांत मेळपी वेगळेपणाचो आनी सारकेपणाचो अभ्यास देखी सयत मांडला. कारवारी बोलयेंत प्रमाण कोंकणीचेच स्वर आनी व्यंजनां आसात पूण उतरांत आनी संयोजनांत वेगळेंपण दिसता. स्वनीमविचाराक आनी पदविचाराक लागून नाम, सर्वनाम, क्रियापद, वचन आनी लिंगांत फरक स्पश्टपणान जाणवता. जाल्यार वाक्यविचारांत उतरांचो बोली भेद आनी उच्चारपाची शैली वेगळी आसा. कारवारी बोलयेचे स्वनीमविचार, पदविचार आनी वाक्यविचार तिका कोंकणीच्या हेर बोलयां परस वेगळी करता. अशे आसून लेगीत ती कोंकणीच्या हेर बोलयां सारखीच आयकुपाक गोड आनी समजुपाक सोंपी आसा.

**विशय केंद्रीत उतरां:** कोंकणी, कारवारी बोली, स्वनीमविचार, पदविचार, वाक्यविचार.

## मांडावळ


| प्रकरण | माथाळो | पान क्र. |
|---|---|---|
| | प्रस्तावना | i |
| | उपकार | ii-iii |
| | तकटे आनी रेखाचित्र | iv-vii |
| | सारांश | viii-ix |
| **1.** | **विशय प्रवेश** | **1-12** |
| | 1.1 प्रस्तावना | |
| | 1.2 संशोधन प्रस्न | |
| | 1.3 अनुमानीक प्रतिज्ञा | |
| | 1.4 अभ्यासाचीं उद्दिश्टां | |
| | 1.5 अभ्यासाचो आवाठ आनी मर्यादा | |
| | 1.6 साहित्य नियाळ | |
| | 1.7 सोद वावराची पद्दत | |
| | 1.8 प्रबंधिकेची उपयुक्तताय | |

1.9 प्रकरणांची मांडावळ

| | | |
|---|---|---|
| **2.** | **कोंकणीची कारवारी बोली- वळख** | **13-21** |

2.1 कोंकणी भाशे कूळ

2.2 कोंकणीच्यो बोलयो

2.2.1 कारवारी बोली

2.3 कारवार वाठाराची वळख

2.3.1 राजकीय

2.3.2 भुगोलीक

2.3.3 इतिहासीक

| | | |
|---|---|---|
| **3.** | **स्वनीमविचार - वर्णन आनी विश्लेशण** | **22-40** |

3.1 स्वनीमविचार (Phonology)

3.1.1 स्वन आनी स्वनीम

3.2 स्वर

3.2.1 फुडलो स्वर

3.2.2 मदलो स्वर

3.2.3 फाटलो स्वर

3.2.4 धांकते स्वर

3.2.5 उकते स्वर

3.2.6 धांकते-उकते स्वर

3.2.7 वांटकुळे स्वर

3.2.8 सादे स्वर

3.3 व्यंजन

3.3.1 स्पोटीं व्यंजनां

3.3.2 घांसडीं व्यंजनां

3.3.3 अनुनासीक व्यंजनां

3.3.4 स्पर्श-संघर्शीं व्यंजनां

3.3.5 पार्श्वीक व्यंजनां

3.3.6 कंपनयुक्त व्यंजन

3.3.7 अर्दस्वर व्यंजनां

3.3.8 व्यंजन संधी (Consonant Cluster)

3.4 अनुस्वार

3.4.1 वचनांत अनुस्वार

3.4.2 लिंगांत अनुस्वार

3.4.3 क्रियापदांत अनुस्वार

3.4.4 सर्वनामांत अनुस्वार

3.5 अल्पप्राण-म्हाप्राण

**4. पदविचार - वर्णन आनी विश्लेशण 41-59**

4.1 पदविचार (Morphology)

4.1.1 रुपीम (Morpheme)

4.1.2 रुपिका (Morphs)

4.2 निमण्या स्वर आनी व्यंजनाचें गळप

4.3 सर्वनाम

4.3.1 पुरूश सर्वनाम

4.3.2 दर्शक सर्वनाम

4.3.3 संबंदी सर्वनाम

4.3.4 प्रस्नार्थी सर्वनाम

4.3.5 आत्मवाचक सर्वनाम

4.3.6 सर्वनामांक लागपी वेगळें कूस

4.4 कृदंत

4.5 वचन

4.5.1 पुरुशलिंगी नामाचें भोववचन

4.5.2 स्त्रीलिंगी नामाचें भोववचन

4.6 ‘वि’ ते ‘इ’ बदल

4.7 एका परस चड अर्थ आशिल्लीं उतरां

4.8 हेर भासांतली उतरावळ

**5. वाक्यविचार- वर्णन आनी विश्लेशण 60-79**

5.1 वाक्यविचार (Syntax)

5.1.1 वाक्य (Sentence)

5.2 रचणुकेचे नदरेन वाक्यांच्यो जाती

5.2.1 सादीं वाक्यां

5.2.2 जोड वाक्यां

5.2.3 मिश्र वाक्यां

5.3 अर्थाचे नदरेन वाक्यांच्यो जाती

5.3.1 विधानार्थीं वाक्यां

5.3.2 प्रस्नार्थीं वाक्यां

5.3.3 आज्ञार्थीं वाक्यां

5.3.4 उमाळीं वाक्यां

5.4 कारवारी म्हणीं: संकलन आनी अर्थावणी

| | | |
|---|---|---|
| **6.** | **समारोप आनी निश्कर्श** | **80-89** |
| | **संदर्भ** | **90-95** |

# प्रकरण 1: विशय प्रवेश

## 1.1 प्रस्तावना

भास हो मनशाच्या जिविताचो एक म्हत्वाचो घटक जावन आसा. भाशे वरवीं मनीस एकामेका कडेन संपर्क सादता. ज्ञान, अणभव, विचार हांची देवाण-घेवाण करता. संवसारांत हजारा वयर भासो आसात. तातूंतलीच एक भास म्हणल्यार कोंकणी. ती एक स्वतंत्र भास आसा. ती भारतांतल्या अस्तंती देगेर म्हणल्यार कोंकण वाठारांत आस्पावपी राज्यांनी उलयतात. देखीक महाराष्ट्र, गोंय, कर्नाटक आनी केरळ. ती गोंयची राजभास. तशेंच भारतीय संविधानाचे आठवे वळेरेंत तिचो आस्पाव आसा.

कोंकणीच्यो साबार बोलयो आसात जातूंतल्यान भाशेची गिरेस्तकाय जाणवता. तांच्यो कांय देखी म्हणल्यार मालवणी, कुडाळी, बारदेशी, अंत्रुजी, साश्टी, काणकोणी, मंगळूरी, केरळी, आदी. तांतूतल्या मालवणी, साश्टी, सत्तरी, कुडाळी, काणकोणी, मंगळुरी आदी बोलयांचेर भासविज्ञानीक पद्दतीन अभ्यास जाल्लो आसा. कारवारी हीय कोंकणीची एक म्हत्वाची बोली पूण तिचेर अजून मेरेन भासविज्ञानीक नदरेन अभ्यास जावूंक ना.

कारवार वाठार भारतांतल्या कर्नाटक राज्यांतल्या उत्तर कन्नड जिल्ल्यांत स्थित आसा. थंय वेगवेगळया धर्माचे लोक रावतात. हेर धर्माचे लोकसंख्ये कडेन तुळा केल्यार हिंदुंची लोकसंख्या चड प्रमाणांत आसा. तशेंच कारवारांत क्रिस्तांव धर्माचे लोकूय आसात. दोनांचीय आवयभास कोंकणी आसा.

एका काळार कारवार वाठारांत मराठी ही शिकपाची भास आशिल्ली. शाळांनी शिक्षण चडशें मराठी भाशेंतल्यान जातालें पूण 1985-86 च्या अदमासाक कन्नड ही थंयची शिकपाची भास म्हण सक्तीची जाली. आदीं कन्नड भाशेचेर जाल्लें दुर्लक्ष तशेंच राजकीय घडामोडी ह्या बदला खातीर कारणीभूत थारल्यो. आयज लेगीत कारवारांत 'हिंदू हाय स्कूल' सोडल्यार बाकी सगळे कडेन कन्नड भाशेंतल्यान शिक्षण दितात. थंयच्या लोकांनी जरी कन्नड ही शिकपाची भास म्हण आपणायली तरी लेगीत सदच्या वेव्हारांत वा दिसपट्टे जिणेंत ते आपले आवयभाशेंत म्हणल्यार कोंकणी उलयतात. कारवारकारांची कारवारी कोंकणी उलोवपाची शैली जरी वेगळी आसली तरी ती सामान्य कोंकणी मनशाक समजूंक जड लागना.

प्रस्तूत अभ्यासांत, 'कोंकणीची कारवारी बोली : एक भासविज्ञानीक अभ्यास' ह्या माथाळ्या खाला कारवार वाठारांत घोळपी कोंकणीची कारवारी बोली जिका 'कोडियाळी' बोली अशेंय म्हणटात तिचो भासविज्ञानीक नदरेन अभ्यास केला. ह्या अभ्यासांत कारवारी कोंकणी प्रमाण कोंकणी परस कशी आनी कितली वेगळी आसा, तिची वैशिश्ट्यां तशेंच

सारकेपणां सोदून काडपाचो यत्न केला. तेच भशेन स्वनीमविचार, पदविचार आनी वाक्यविचार ह्या संकल्पना विशीं म्हायती, वर्णन, विश्लेशण आनी देखी कारवारी बोलयेच्या संदर्भांत आसात.

## 1.2 संशोधन प्रस्न

कोंकणीच्या हेर कांय बोलयांचेर भासविज्ञानीक पद्दतीन अभ्यास जाल्लो आसा पूण कोंकणीचे कारवारी बोलयेचेर भासविज्ञानीक पद्दतीन अभ्यास केल्लो ना.

## 1.3 अनुमानीक प्रतिज्ञा

कारवार वाठार भारताच्या कर्नाटक राज्यांत स्थित आशिल्ल्यान आनी कन्नड ही कर्नाटकाची राजभास आशिल्ल्यान कोंकणीचे कारवारी बोलयेचेर कन्नड भाशेचो प्रभाव आसूं येता.

## 1.4 अभ्यासाचीं उद्दिश्टां

1. कारवारी कोंकणी प्रमाण कोंकणी परस कशी आनी कितली वेगळी आसा तें जाणून घेवपाचो हेतू आसा.
2. व्याकरणांत आशिल्लें वेगळेपण समजून तें दाखोवन दिवपाचो हेतू आसा.

3. स्वनीमविचाराची, पदविचाराची आनी वाक्यविचाराची संकल्पना समजून कारवारी कोंकणीच्या संदर्भांत तांचे वर्णन आनी विश्लेशण करपाचो हेतू आसा.
4. कारवारी बोलयेचेर हेर भासांचो कसो आनी कितलो प्रभाव पडला हें अभ्यासपाचो हेतू आसा.

## 1.5 संशोधनाचो आवाठ आनी मर्यादा

कारवारांत वेगवेगळ्या धर्माचे, जातीचे लोक रावतात. प्रत्येक धर्माचे वा जातीचे लोक एक सारकी कोंकणी उलयतात अशें ना. तांच्या उलोवपाच्या शैलींत, उतरावळींत वेगळेपणां आसात. हीं वेगळेपणां फकत धर्म वा जाती भितरूच आसात अशें ना. तर प्रत्येक गांवांनी लेगीत हीं वेगळेपणां आसात.

कारवारी कोंकणीचो आवाठ खूब व्हड आसा. तिचो अभ्यास पुरायपणान एका सोद वावरांत करप शक्य ना. देखून प्रस्तूत अभ्यासांत कारवारचे सगळेच गांव अभ्यासा खातीर घेयनासतना फकत बोरे, बाड आनी सदाशिवगड हे कांय वेंचीक अशे गांव घेवन त्या गांवांनी घोळपी कोंकणीचो अभ्यास जातलो.

## 1.6 साहित्य नियाळ

कोंकणीच्या कारवारी बोलयेचेर भासविज्ञानीक पद्दतीन केल्लो हो पयलो वयलो वावर जाल्ल्यान हो वावर करतना आदीं केल्ल्या खंयच्याय सोद वावराचेर वा अभ्यासाचेर पुरायपणान अवलंबून रावप शक्य नाशिल्ले.

ए. एम्. घाटगे हांणी मराठीच्यो बोलयो म्हण काणकोणचे, गोंयच्या गावड्यांचे, साउथ कॅनराचे आनी कोचीनचे कोंकणीचो भासविज्ञानीक अभ्यास आपल्या 'सर्वे ऑफ मराठी डायलॅक्ट्स' ह्या पुस्तकांनी केल्लो आसा.

डॅनीस वाज हांणी 2017 वर्सा 'साश्टी क्रिस्तांवांची बोली: सुदीर-गावडा मोडयांच्या संदर्भांत भाशाशास्त्रीय अभ्यास' हो सोद प्रबंध गोंय विद्यापीठांत सादर केला. तातूंत गोंयच्या साश्टी वाठारांत घोळपी कोंकणीचे साश्टी बोलयेचेर भासविज्ञानीक नदरेन केल्लो अभ्यास मांडला. साश्टी क्रिस्तांवांची बोली, सुदीर आनी गावड्यांच्या बोलयांनी दिसपीं साम्यां आनी वेगळेपणां अभ्यासकान मांडल्यांत.

गोविंद मोपकार हांणी 2021 वर्सा 'A Grammatical Outline of the Sattari Variety of Konkani spoken in Goa' ही प्रबंधिका पुणेच्या डेक्कन कॉलेज, पोस्ट ग्रॅज्युएट एन्ड रिसर्च इन्स्टिट्यूटाच्या भासविज्ञानीक विभागाक सादर केल्या. तातूंत सत्तरी

वाठारांतल्या कोंकणीची प्रमाण कोंकणी कडेन तुळा करून तिची खाशेलपणां मांडिल्लीं आसात.

2019 वर्सा जी. एन्. देवी, माधवी सरदेसाय आनी दामोदर मावजो हांच्यानी संपादीत केल्ल्या 'People's Linguistic Survey of India, Volume Eight, Part II, The Languages of Goa' ह्या पुस्तकांत सात संशोधन लेख आसात जातूंत गोंयच्या कांय कोंकणी बोलयांचो भासविज्ञानीक नदरेन अभ्यास केल्लो आसा. देखीक: 'The Regional and Social Varieties of Konkani: Konkani of Kankon', 'Linguistic Richness on the Banks of River Mhadei', 'The Konkani Variety of Pernem Taluka', 'Saxtti Konkani', 'The Velip Variety of Konkani', 'Padey Social Variety' आनी 'Goan Urdu Konkani'.

**1.7 सोद वावराची पद्दत**

1. प्रत्यक्ष मुलाखती.
2. सदच्या उलोवपांतल्यान केल्लें निरिक्षण.
3. तुलनात्मक पद्दत.
4. वर्णनात्मक पद्दत.

## 1.8 प्रबंधिकेची उपयुक्तताय

1. कोंकणीचे कारवारी बोलयेची वळख जातली.
2. कोंकणीचे कारवारी बोलयेचीं वैशिश्ट्यां आनी वेगळेपणां जाणवतलीं.
3. कोंकणीच्या हेर बोलयां कडेन कारवारी बोलयेचो भासविज्ञानीक नदरेन तुलनात्मक अभ्यास करपाक ही प्रबंधिका आदाराची थारू येता.

## 1.9 प्रकरणांची मांडावळ

'कोंकणीची कारवारी बोली: एक भासविज्ञानीक अभ्यास' ह्या अभ्यासाची प्रकरणांची मांडणी सकयल नमूद केल्ले प्रमाण आसा:

**1. विशय प्रवेश**

1.1 प्रस्तावना

1.2 संशोधन प्रस्न

1.3 अनुमानीक प्रतिज्ञा

1.4 अभ्यासाचीं उद्दिश्टां

1.5 अभ्यासाचो आवाठ आनी मर्यादा

1.6 साहित्य नियाळ

1.7 सोद वावराची पद्दत

1.8 प्रबंधिकेची उपयुक्तताय

1.9 प्रकरणांची मांडावळ

**2. कोंकणीची कारवारी बोली- वळख**

2.1 कोंकणी भाशे कूळ

2.2 कोंकणीच्यो बोलयो

2.2.1 कारवारी बोली

2.3कारवार वाठाराची वळख

2.3.1 राजकीय

2.3.2 भुगोलीक

2.3.3 इतिहासीक

**3. स्वनीमविचार- वर्णन आनी विश्लेशण**

3.1 स्वनीमविचार (Phonology)

3.1.1 स्वन आनी स्वनीम

3.2 स्वर

3.2.1 फुडलो स्वर

3.2.2 मदलो स्वर

3.2.3 फाटलो स्वर

3.2.4 धांकते स्वर

3.2.5 उकते स्वर

3.2.6 धांकते-उकते स्वर

3.2.7 वांटकुळे स्वर

3.2.8 सादे स्वर

3.3 व्यंजन

3.3.1 स्पोटीं व्यंजनां

3.3.2 घांसडीं व्यंजनां

3.3.3 अनुनासीक व्यंजनां

3.3.4 स्पर्श-संघर्शीं व्यंजनां

3.3.5 पार्श्वीक व्यंजनां

3.3.6 कंपनयुक्त व्यंजन

3.3.7 अर्दस्वर व्यंजनां

3.3.8 व्यंजन संधी (Consonant Cluster)

3.4 अनुस्वार

3.4.1 वचनांत अनुस्वार

3.4.2 लिंगांत अनुस्वार

3.4.3 क्रियापदांत अनुस्वार

3.4.4 सर्वनामांत अनुस्वार

3.5 अल्पप्राण-म्हाप्राण

**4. पदविचार- वर्णन आनी विश्लेशण**

4.1 पदविचार (Morphology)

4.1.1 रुपीम (Morpheme)

4.1.2 रुपिका (Morphs)

4.2 निमण्या स्वर आनी व्यंजनाचें गळप

4.3 सर्वनाम

4.3.1 पुरूश सर्वनाम

4.3.2 दर्शक सर्वनाम

4.3.3 संबंदी सर्वनाम

4.3.4 प्रस्नार्थी सर्वनाम

4.3.5 आत्मवाचक सर्वनाम

4.3.6 सर्वनामांक लागपी वेगळें कूस

4.4 कृदंत

4.5 वचन

4.5.1 पुरुशलिंगी नामाचें भोववचन

4.5.2 स्त्रीलिंगी नामाचें भोववचन

4.6 ‘वि’ ते ‘इ’ बदल

4.7 एका परस चड अर्थ आशिल्लीं उतरां

4.8 हेर भासांतली उतरावळ

**5. वाक्यविचार- वर्णन आनी विश्लेशण**

5.1 वाक्यविचार (Syntax)

5.1.1 वाक्य (Sentence)

5.2 रचणुकेचे नदरेन वाक्यांच्यो जाती

5.2.1 सादीं वाक्यां

5.2.2 जोड वाक्यां

5.2.3 मिश्र वाक्यां

5.3 अर्थाचे नदरेन वाक्यांच्यो जाती

5.3.1 विधानार्थीं वाक्यां

5.3.2 प्रस्नार्थीं वाक्यां

5.3.3 आज्ञार्थीं वाक्यां

5.3.4 उमाळीं वाक्यां

5.4 कारवारी म्हणीं: संकलन आनी अर्थावणी

**6. समारोप आनी निश्कर्श**

**संदर्भ**

# प्रकरण 2: कोंकणीची कारवारी बोली- वळख

## 2.1 कोंकणी भाशे कूळ

भारतीय येवरोपी भाशे कुळाचीं मुखेलपणान 11 उप-कुळां आसात. देखीक: भारतीय-इराणी, हॅलेनीक, इटालीक, कॅल्टीक, जर्मेनीक, स्लावोनीक, बाल्टीक, आर्मेनियन, आल्बेनियन, आनातोलियन आनी तोखारियन. तातूंतलें एक म्हत्वाचें उप-कूळ म्हणल्यार भारतीय-इराणी भाशीक कूळ. भारतीय-इराणी भाशीक कुळाचे दोन वांटे आसात:- भारतीय आर्य आनी इराणी.

भारतीय आर्य कूळ भारतांत पसवले. हाचे आर्विल्ल्या काळा वयले चार फांटे आसात. तातूंतल्या दक्षीण-पश्चीम फाट्यांत गुजराती मराठी बरोबर कोंकणीय आसा. भारतांत चडशो भारतीय-आर्य, मुंडा, द्रविडी आनी तिबेटो-बर्मन ह्या भाशीक कुळांतल्यो भासो उलयतात.  भारतीय-आर्य भाशीक कुळाक म्हत्वाचें अशें कूळ मानिल्लें आसा. संस्कृत ही ह्या कुळांतली सगळ्यांत पुर्विल्ली भास जावन आसा. कोंकणीचो उद्भव ह्याच कुळांतल्यान जाल्लो आसा. तशेंच हिंदी,  बंगाली,  पंजाबी, मराठी, गुजराती,  उडिया, आसामी, काश्मिरी, नेपाळी, सिंधी, सिंहली सारक्यो भासो लेगीत भारतीय-आर्य भाशीक कुळांतल्यानच जल्माक आयिल्ल्यो आसात.

## 2.2 कोंकणीच्यो बोलयो

कोंकणीच्यो साबार बोलयो आसात. देखीक: मालवणी, कुडाळी, बारदेशी, अंत्रुजी, साश्टी, काणकोणी, कारवारी, मंगळूरी, केरळी, आदी. महाराष्ट्र, गोंय, कर्नाटक आनी केरळ ह्या कोंकण वाठारांत आस्पावपी राज्यांनी कोंकणीच्यो ह्यो बोलयो उलयतात.

कोंकण वाठाराच्या उत्तर भागांत म्हणल्यार महाराष्ट्राच्या मालवण वाठारांत कोंकणीची मालवणी बोली उलयतात. हो वाठार महाराष्ट्रांत स्थित आशिल्ल्यान आनी मराठी ही महाराष्ट्राची राजभास आशिल्ल्यान हे बोलयेचेर मराठी भाशेचो प्रभाव पडिल्लो आसा.

कोंकण वाठाराच्या मध्य भागांत म्हणल्यार गोंयांत कोंकणीच्यो चड बोलयो घोळटात. देखीक: कुडाळी, सत्तरी, बारदेशी, अंत्रुजी, साश्टी, काणकोणी आदी. तातूंतले पेडणे वाठारांतले कुडाळी बोलयेचेर मराठी भाशेचो प्रभाव दिसता कारण पेडणे वाठार हो महाराष्ट्राचो शेजारी वाठार. अंत्रुजी बोलयेचेर लेगीत मराठीचो प्रभाव पडिल्लो आसा कारण एका काळार ह्या वाठाराचेर मराठ्यांचें राज्य चलतालें. आयज हे बोलयेक प्रमाण बोली अशें मानतात जाचें श्रेय शणै गोंयबाबाक वता.

बारदेशी बोली ही उत्तर गोंयांत चड प्रमाणांत घोळटा. गोंयच्या कोंकणी साहित्याच्या इतिहासांत लेगीत तिचो आस्पाव आसा. साश्ट वाठाराचेर पुर्तुगेज राजवटींचो 450 वर्सां शेक चलिल्लो देखून कोंकणीचे साश्टी बोलयेचेर पुर्तुगेज भाशेचो प्रभाव चड प्रमाणांत दिसता. तशेंच हे बोलयेंत मिशनरी पाद्रींनी रचिल्लें साहित्यूय मेळटा. हे भायर गोंयांत आनीकूय कितल्योश्योच बोलयो घोळटात. गोंयचेर साबार राजवटींनी राज्य केल्ल्या कारणान आनी महाराष्ट्र आनी कर्नाटक हीं गोंयचीं शेजारचीं राज्यां आशिल्ल्यान गोंयच्या ह्या बोलयांचेर मराठी, कन्नड, फार्सी-अरबी आनी पुर्तुगेज भासांचो प्रभाव चड प्रमाणांत दिसता.


कोंकण वाठाराच्या दक्षीण भागांत म्हणल्यार कर्नाटकांत आनी केरळांत कोंकणीच्यो बोलयो मेळटात. तातुंतल्यो कांय मुखेल बोलयो म्हणल्यार कोंकणीची कारवारी बोली, मंगळुरी बोली आनी केरळी बोली. कोंकणीच्यो फकत ह्यो प्रादेशीक बोलयो नात तर समाजीक बोलयो लेगीत भरपूर आसात जातूंतल्यान भाशेची समृध्दताय जाणवता.

### 2.2.1 कारवारी बोली

कोंकणीच्या साबार बोलयां मदीं कारवारी बोली ही एक म्हत्वाची बोली आसा. तिका 'कोडयाळी' बोली अशेंय म्हणटात. कारवारकार सदच्या वेव्हारांत आनी दिसपट्टे जिणेंत हेच बोलयेन उलयतात. कारवार वाठार भारताच्या कर्नाटक राज्यांत स्थित

आशिल्ल्यान आनी कन्नड ही कर्नाटकाची राजभास आशिल्ल्यान कोंकणीचे कारवारी बोलयेचेर कन्नड भाशेचो प्रभाव आसा तशेंच मराठी भाशेचोय भरपूर प्रभाव हे बोलयेचेर दिसता. हे बोलयेचीं आपलीं अशीं कांय खाशेलीं वैशिश्ट्यां आसात जीं तिचे स्वनीम-विचारांतल्यान, पद-विचारांतल्यान आनी वाक्य-विचारांतल्यान दिसतात.

## 2.3 कारवार वाठाराची वळख




**रेखाचित्र क्र. 2.1 - कारवार वाठाराचो नकसो**

### 2.3.1 राजकीय

कारवार वाठार भारतांतल्या कर्नाटक राज्यांतल्या उत्तर कन्नड जिल्ल्यांत स्थित आसा. ह्या वाठाराची जमीन 732.1 चौ. किलोमीटर आसा. 2011 वर्साचे जनगणने प्रमाण कारवार वाठारांत वट्ट 19,820 कुटुंबां रावतात. कारवाराची वट्ट लोकसंख्या

77,139 आसा. तातूंत 38,784 दादले आनी 38,355 बायलो आसात. कारवाराचें सरासरी लिंग गुणोत्तर 989 आसा.

कारवारांत माजाळी, होटेगाळी, हणकोण, मुडगेरी, बोरे, कद्रा, हळगा, उळगा, सदाशिवगड, खारगा, शिद्दर, किन्नर, आंगडी, होसाळी, अस्नोटी, भैरा, अमदळ्ळी, केरवडी, बाड, शेजवाड, आदी अशे पन्नासा वयर गांव आस्पावतात. तरेकवार जातींचे लोक थंय राबितो करून आसात. देखीक: वाजंत्री, देवळी, सोनार, भंडारी, चामार, कुंभार, कोकणे, गाबीत, म्हार, कोमारपंत, गोसावी, पडती, कुणबी, गुनगी, गावडी आदी. तशेंच वेगवेगळ्या धर्माचेय लोक थंय रावतात. हेर धर्माचे लोकसंख्ये कडेन तुळा केल्यार हिंदुंची लोकसंख्या चड प्रमाणांत आसा. तशेंच कारवारांत क्रिस्तांव धर्माचे लोकूय आसात. दोनांचीय आवयभास कोंकणी.

‘कोणें’ हें कारवार वाठाराचें मूळ नांव. जाल्यार ब्रिटीश अधिकारी कारवाराक ‘काडवाड’ म्हणटाले. ‘काडवाड’ हें नांव कारवाराक त्या काळार शेजारच्या ‘कडवाड’ गांवा वयल्यान पडिल्लें आसा. उपरांत ब्रिटीश अधिकाऱ्यानीं काडवाड बरयतना ‘ड’ चें ‘र’ केलें आनी काडवाडाचें ‘कारवार’ केलें. तेन्नाच्यान ह्या वाठाराक ‘कारवार’ म्हण वळखूंक लागले अशी म्हायती यशवंत सदानंद पालेकार हांणी बरयल्ल्या ‘कारवार एक

सोबीत वाठार' ह्या गोवा बोर्डाच्या बारावेच्या कोंकणी विशयाच्या अभ्यासक्रमांत आशिल्ल्या एका पाठांत मेळटा.

### 2.3.1 भुगोलीक

कारवार हो सैमान नटिल्लो सुपुल्लो वाठार. ताचे पश्चिमेक अरबी दर्या जाल्यार पुर्वेक सह्याद्री पर्वताची रांग आसा. गोंय हें ताचें शेजारचें राज्य आसा. कारवाराक 'कर्नाटकाचें काश्मीर' म्हण वळखतात.

कारवार हो दर्यादिगेवेल्या पट्टेचेर आसून ताका 'मॉन्सून कोस्ट' ह्या नांवान वळखतात. कारवारांत मार्च ते मे मेरेन उश्ण आनी दमट गिमाळो आसता जंय तापमान 38° से. मेरेन पावता. कारवारांत वर्सुकी सरासरी तापमान 26.3° से. 79.4° फैरन्हाइट् आसता आनी पावस 2983 मी मी. 117.4 इंच आसता.

कारवार हो शेती प्रधान वाठार आशिल्ल्यान थंय शेतां-भाटां भरपूर आसात. तशेंच थंय दाट रानां, विशाळ दोंगर, खोल आनी लांब न्हंयो, घसघशे आसात. कारवारांतल्या झाडांच्या वनस्पतींत (Tree Flora) सुमार 106 जातींचो आस्पाव जाता, तातूंतली सुमार 70% देशी जाती आसात. तशेंच मोनजातीचेंय प्रमाण खूब आसा.

कारवारांत देवबाग, मजाळी, कारवार ह्यो दर्यावेळो, कुरुमगड जुंवो, काळी न्हंय गार्डन, कद्रा-कोडसळी धरण, अणशी राश्ट्रीय उद्यान,चेंडिया आनी नगरमाडी धबधबो, गुड्डहल्ली तेमूक, देवकर धबधबो, हब्बू पर्वत, शिर्वे घाट, आदी हीं पर्यटन स्थळां आसात. तशेंच कोट शिवेश्वर, सदाशिवगड किल्लो, शाहकारमुद्दीन दरगाह, सदाशिवगड (सूफी संताची कबर), आदी इतिहासीक स्थळां आसात.

**2.3.2 इतिहासीक**

कारवार वाठाराचो इतिहास खूब व्हड आसा. तातूंतल्यो कांय म्हत्वाच्यो इतिहासीक घडणुको सकयल नमूद केल्यात.

1510 वर्सा पुर्तुगेजांनी कारवारचो एक किल्लो ताब्यांत घेतलो आनी जळयलो. 1638 वर्सा इंग्लीश ट्रेडिंग कोर्टीन असोसिएशनान कारवाराचे उद्देतेक 6 कि.मी. अंतराचेर आशिल्ल्या कडवाड गांवांत कारखानो स्थापन केलो आनी अरबस्तान आनी आफ्रिकेंतल्या वेपाऱ्यां कडेन वेपार केलो.

1700त कारवार हो मराठा साम्राज्याचो एक भाग आशिल्लो. दक्षिणेक बेडनोर सावन मोर्चा काडून, वाटेर गोकर्णांतल्या पवित्र देवळाक भेट दिवन शिवाजीन अंकोला जप्त

केलो आनी दुसऱ्या दिसा कारवाराक (तेन्ना कडवाड ह्या नांवान वळखताले) आयलो. शिवाजीन काळी न्हंय हुंपून 21 फेब्रुवारी 1665 दिसा कारवारचो सदाशिवगड जिखलो.

1784 वर्सा टिपू सुलतान आनी ईस्ट इंडिया कंपनी हांचे मदीं मंगळूर कबलात (Treaty of Manglore) जाली. तिसऱ्या अँग्लो-मराठा झुजांत मराठ्याची पराजय जाली आनी ब्रिटीश राजवटीन कारवाराक आपल्या ताब्यांत घेतलो.

1882 वर्सा कारवाराक भेट दिवपी बंगाली कवी आनी नोबेल पुरस्कार विजेतो रवींद्रनाथ टागोर हाणें आपल्या संस्मरणाचो एक अध्याय ह्या वाठाराक समर्पित केल्लो आसा.

1857 पयलीं कारवार शार म्हण अस्तित्वांत नाशिल्लें. ब्रिटीशांनी 1857 वर्सा कारवार हें नगर (Township) बांदलें. 1950-60 च्या काळांत कारवारान कोंकणी भाशेच्या आंदोलनांत म्हत्वाचो वांटो घेतलो. कोंकणी भाशेचो प्रचार करपा खातीर कोंकणी परिशद घडोवन हाडपाक कारवार वाठाराचो म्हत्वाचो वांटो आशिल्लो.

कारवार वाठाराची राजकीय, भुगोलीक आनी इतिहासीक वळख अफाट आशिल्ल्यान प्रस्तूत प्रकरणांत म्हत्वाचीच म्हायती दिल्या. ह्या अभ्यासाच्या फुडल्या

प्रकरणांत कारवारी बोलयेच्या स्वनीम-विचाराचो अभ्यास केला. तातूंत कारवारी बोलयेची प्रमाण कोंकणी बोलये कडेन तुळा करून स्वनीम-विचारांत मेळपी वेगळेपणाचो आनी सारकेपणाचो अभ्यास देखी सयत मांडला.

# प्रकरण 3: स्वनीमविचार - वर्णन आनी विश्लेशण

व्याकरण विचाराचे तीन म्हत्वाचे फांटे आसात:- स्वनीमविचार, पदविचार आनी वाक्यविचार. तातूंतल्या स्वनीमविचाराचो अभ्यास कारवारी बोलयेच्या संदर्भांत प्रस्तूत प्रकरणांत मांडला. कारवारी बोलयेची प्रमाण कोंकणी बोलये कडेन तुळा करून स्वनीम-विचारांत मेळपी वेगळेपणाचो आनी सारकेपणाचो अभ्यास देखी सयत ह्या प्रकरणांत मांडला.

## 3.1 स्वनीमविचार (Phonology)

भाशेच्या नादांचो अभ्यास करपी आनी तिच्या नादांचें वर्गीकरण आनी विश्लेशण करपी व्याकरण विचाराच्या फांट्याक नाद-वेवस्ता वा स्वनीमविचार अशें म्हणटात. इंग्लीशींत ताका फोनोलॉजी (Phonology) म्हणटात.

डॅनियल जोन्स (Daniel Jones) हाका ध्वनीविज्ञानाचो जनक म्हूण वळखतात. ध्वनीविज्ञानाचो तो आविश्कारक नासलो पूण ह्या मळार ताणें दिल्ल्या योगदानाक लागून ताका ही पदवी फावो जाल्या. तो भाशाशास्त्रज्ञ आनी लंडनांतल्या युनिव्हर्सिटी कॉलेजींत ध्वनीविज्ञानाचो प्राध्यापक आशिल्लो. जोन्स हाणें कार्डिनल स्वर आकृतीचो (cardinal vowel diagram) सोद लायलो. ताणें 'ऐन आउटलाइन ऑफ इंग्लीश फोनेटिक्स' (An Outline of English Phonetics) हें पुस्तक बरयल्लें आसा.

डॉ. माधवी सरदेसाय आपल्या ‘भासाभास’ पुस्तकांत स्वनीमविचारा विशीं म्हणटात:

“पाणिनिच्या संस्कृत भाशे वयल्या वावरा सावन स्वनीम-विचाराची सुरवात जाता अशें मानतात. ब्लूमफिल्ड पाणिनिंच्या ह्या वावरान खूब प्रभावीत जाल्ले.” (सरदेसाय, 45)

स्वनीमविचाराच्या नव्या युगाच्या आरंभा फाटल्यान च्यॉम्स्की (Chomsky) आनी हॅली (Halle) हांच्या ‘द साउंड पॅटर्न ऑफ इंग्लीश’(The Sound Pattern of English) ह्या पुस्तकाचो म्हत्वाचो वांटो आसा अशें मानतात.

मरियम वेबस्टर अनअब्रिज्ड (Merriam Webster Unabridged) कोशा प्रमाण:

“Phonology is the science of speech sounds including especially the history and theory of sound changes in a language or in two or more related languages.”

(https://www.merriam-webster.com/dictionary/phonology)

(स्वैर अणकार: भाशे भितर वा दोन वा चड संबंदीत भासां मदीं ध्वनी बदलांचो इतिहास आनी सिध्दांत हांचो आस्पाव करपी ध्वनीविज्ञानाचें शास्त्र म्हणल्यार स्वनीमविचार.)

### 3.1.1 स्वन आनी स्वनीम

जिबेर घोळपी आनी कानार पडपी नादांक स्वन म्हणटात. ते भाशीक वेव्हाराचे म्हत्वाचे तत्व जावन आसात. तांच्याच आदारान स्वनिमां अस्तित्वांत येतात. जाल्यार शब्दांत अर्थपूर्ण फरक

करपाची तांक आशिल्ल्या नाद-वेवस्तेच्या सगळयांत ल्हान घटकाक स्वनीम म्हणटात. स्वनिमांच्यो दोन तरा आसात:- खंडी (segmental) आनी खंड-पातयेवणीं (suprasegmental). खंडी स्वनिमांत स्वर आनी व्यंजनाचो आस्पाव आसता. ह्या स्वनिमांचो उच्चार स्वतंत्रपणान करूं येता जाल्यार खंड-पातयेवणीं स्वनिमां उच्चार खंडी स्वनिमा वांगडाच करचो पडटा. खंड-पातयेवणीं स्वनिमां दोन तरांची आसतात तीं म्हणल्यार नेट आनी सूर.

## 3.2 स्वर

### 3.2.1 फुडलो स्वर

कारवारी बोलयेंत ‘इ’ हो फुडलो स्वर उतराचे सुरवातेक, मदीं आनी शेवटाक घोळटा.

देखीक:

**तकटो क्र. 3.1 - फुडलो स्वर**

| **स्वर** | **इ** |
|---|---|
| **उतराचे सुरवेक** | इडो |
| **उतराचे मदीं** | माणीक |
| **उतराचे शेवटाक** | मासळी |

### 3.2.2 मदलो स्वर

कारवारी बोलयेंत 'अ' हो मदलो स्वर उतराचे सुरवातेक, मदीं आनी शेवटाक घोळटा.

देखीक:

**तकटो 3.2 - मदलो स्वर**

| स्वर | अ |
|---|---|
| **उतराचे सुरवेक** | अकरा |
| **उतराचे मदीं** | हुनत |
| **उतराचे शेवटाक** | कांबळ |

### 3.2.3 फाटलो स्वर

कारवारी बोलयेंत 'उ' हो फाटलो स्वर उतराचे सुरवातेक, मदीं आनी शेवटाक घोळटा.

देखीक:

**तकटो क्र. 3.3 - फाटलो स्वर**

| स्वर | उ |
|---|---|
| **उतराचे सुरवेक** | उत्सव |
| **उतराचे मदीं** | कोंबुल्लो |
| **उतराचे शेवटाक** | लाडू |

### 3.2.4 धांकते स्वर

कारवारी बोलयेंत ‘उ’ हें धांकते स्वर उतराचे सुरवातेक, मदीं आनी शेवटाक येता पूण ‘ओ’ हें धांकते स्वर फकत उतराचे सुरवातेक आनी मदीं येता पूण शेवटाक येना. देखीक:

**तकटो क्र. 3.4 - धांकते स्वर**

| स्वर | उ | ओ |
|---|---|---|
| **उतराचे सुरवेक** | उलय | ओग्गी |
| **उतराचे मदीं** | काटूक | काळोक |
| **उतराचे शेवटाक** | म्हारू | - |

### 3.2.5 उकते स्वर

कारवारी बोलयेंत ‘आ’ हें उकते स्वर उतराचे सुरवातेक, मदीं आनी शेवटाक येता पूण ‘ऑ’ हें उकते स्वर फकत उतराचे सुरवातेक आनी शेवटाक येता पूण मदीं येना.

देखीक:

**तकटो क्र. 3.5 - उकते स्वर**

| स्वर | आ | ऑ |
|---|---|---|
| **उतराचे सुरवेक** | आठय | घॉडॉ (घोडो) |
| **उतराचे मदीं** | पत्रावळ | - |
| **उतराचे शेवटाक** | उदा | पाडॉ (पाडो) |

### 3.2.6 धांतके-उकते स्वर

कारवारी बोलयेंत ‘ए’ हें धांकते-उकते स्वर उतराचे सुरवातेक आनी मदीं येता पूण शेवटाक येना. ‘ऍ’ हें धांकते-उकते स्वर उतराचे सुरवातेक, मदीं आनी शेवटाक येता. ‘ओ’ हें धांकते-उकते स्वर फकत उतराचे सुरवातेक आनी मदीं येता पूण शेवटाक येना. जाल्यार ‘ऑ’ हें धांकते-उकते स्वर फकत उतराचे सुरवातेक आनी शेवटाक येता पूण मदीं येना.

देखीक:

**तकटो क्र. 3.6 - धांकते-उकते स्वर**

| **स्वर** | **ए** | **ऍ** | **ओ** | **ऑ** |
|---|---|---|---|---|
| **उतराचे सुरवेक** | एक | तॅल (तेल) | कोण | कॉलॉ (कोलो) |
| **उतराचे मदीं** | आमगेर | तॅमगॅल (तेमगेल) | इनोद | - |
| **उतराचे शेवटाक** | - | सगळॅ(सगळे) | - | पिलॉ (पिलो) |

### 3.2.7 वांटकुळे स्वर

कारवारी बोलयेंत ‘उ’ हें वांटकुळे स्वर उतराचे सुरवातेक, मदीं आनी शेवटाक येता पूण ‘ओ’ हें वांटकुळे स्वर फकत उतराचे सुरवातेक आनी मदीं येता पूण शेवटाक येना.

देखीक:

**तकटो क्र. 3.7 - वांटकुळे स्वर**

| **स्वर** | **उ** | **ओ** |
|---|---|---|
| **उतराचे सुरवेक** | उश्टे | ओली |
| **उतराचे मदीं** | बेळुंजे | काळोक |
| **उतराचे शेवटाक** | कोडू | - |

### 3.2.8 सादे स्वर

कारवारी बोलयेंत 'आ' आनी 'इ' हे सादे स्वर उतराचे सुरवातेक, मदीं आनी शेवटाक येता जाल्यार 'ए' हें सादे स्वर उतराचे सुरवातेक आनी मदीं येता पूण शेवटाक येना.

देखीक:

**तकटो क्र. 3.8 - सादे स्वर**

| **स्वर** | **आ** | **इ** | **ए** |
|---|---|---|---|
| **उतराचे सुरवेक** | आयतार | इमान | एकवीस |
| **उतराचे मदीं** | म्हातारो | बारीक | आमगेर(आमगेर) |
| **उतराचे शेवटाक** | पाना | नगली | - |

## 3.3 व्यंजन

### 3.3.1 स्पोटीं व्यंजनां

कारवारी बोलयेंत ‘प्’, ‘ब्’, ‘त्’, ‘द्’, ‘ट्’, ‘ड्’, ‘क्’ आनी ‘ग्’ हीं स्पोटी व्यंजनां उतराचे सुरवातेक, मदीं आनी शेवटाक येतात.

देखीक:

**तकटो क्र. 3.9 - स्पोटीं व्यंजनां**

| **व्यंजन** | **प्** | **ब्** | **त्** | **द्** | **ट्** | **ड्** | **क्** | **ग्** |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| **ओंठये/दांतये/ दांत-ओंठये/ दांतमुळये/ ताळवें/ मोवताळवे/मूर्धन्य/ स्वासदारीय** | ओंठये | ओंठये | दांतये | दांतये | मूर्धन्य | मूर्धन्य | मोवताळवे | मोवताळवे |
| **घोश/अघोश** | अघोश | घोश | अघोश | घोश | अघोश | घोश | अघोश | घोश |
| **उतराचे सुरवेक** | **पो**र | **बे**लग | **ता**प | **दा**य | **टो**मीट | **ड**बो | **क**वड | **ग**वजी |
| **उतराच्या मदीं** | का**प**ड | ख**ब**र | मा**त**र | ब**द**क | बा**ट**ली | क**ड**क | ला**कू**ड | पे**गा**रो |
| **उतराच्या शेवटाक** | मा**प** | लां**ब** | हुन**त** | उ**दा** | खो**टो** | को**डू** | ता**क** | जा**गो** |

### 3.3.2 घांसडीं व्यंजनां

कारवारी बोलयेंत ‘श्’ आनी ‘स्’ हीं घांसडीं व्यंजनां उतराचे सुरवातेक, मदीं आनी शेवटाक येतात पूण ‘ष्’ हें घांसडें व्यंजन कारवारी बोलयेंत ना.

देखीक:

**तकटो क्र. 3.10 - घांसडीं व्यंजनां**

| व्यंजन | श् | स् |
|---|---|---|
| **ओंठये/दांतये/ दांत-ओंठये दांतमुळये/ताळवे/ मोवताळवे/मूर्धन्य/ स्वासदारीय** | ताळवे | दांतये |
| **घोश/अघोश** | अघोश | अघोश |
| **उतराचे सुरवेक** | **शा**ळा | **सा**वळी |
| **उतराचे मदीं** | न**शी**ब | क**सा**य |
| **उतराचे शेवटाक** | देड**शी** | ता**स** |

### 3.3.3 अनुनासीक व्यंजनां

कारवारी बोलयेंत ‘ण्’, ‘न्’ आनी ‘म्’ हीं अनुनासीक व्यंजनां उतराचे सुरवातेक, मदीं आनी शेवटाक येतात.

देखीक:

**तकटो क्र. 3.11- अनुनासीक व्यंजनां**

| **व्यंजन** | **ण्** | **न्** | **म्** |
|---|---|---|---|
| **ओंठये/दांतयें/ दांत-ओंठये/दांतमुळये/ताळवे/ मोवताळवे/ मूर्धन्य/ स्वासदारीय** | मूर्धन्य | दांतये | ओंठये |
| **घोश/अघोश** | घोश | घोश | घोश |
| **उतराचे सुरवेक** | **ण**व | **नि**स्ते | **मे**स्त |
| **उतराचे मदीं** | इ**ण**प | म**नी**स | स**म**य |
| **उतराचे शेवटाक** | भा**ण** | अपमा**न** | जा**म** |

**3.3.4 स्पर्श-संघर्शी व्यंजनां**

कारवारी बोलयेंत 'च्' आनी 'झ्' हीं स्पर्श-संघर्शी व्यंजनां उतराचे सुरवातेक, मदीं आनी शेवटाक येतात पूण 'छ्' आनी 'झ्' हीं स्पर्श-घर्शी व्यंजनां फकत उतराचे सुरवातेक येतात. उतराचे मदीं आनी शेवटाक तीं येनात.

देखीक:

**तकटो क्र. 3.12 - स्पर्श संघर्शी व्यंजनां**

| **व्यंजन** | **च्** | **छ्** | **ज्** | **झ्** |
|---|---|---|---|---|
| **ओंठये/दांतये/ दांत-ओंठये/दांतमुळये/** | ताळवे | ताळवे | ताळवे | ताळवे |

| ताळवे/ मोवताळवे/ मूर्धन्य/ स्वासदारीय | | | | |
|---|---|---|---|---|
| **घोश/अघोश** | अघोश | अघोश | घोश | घोश |
| **उतराचे सुरवेक** | **च**प्पल | छाती | **जा**गो | **झा**ड |
| **उतराचे मदीं** | क**च**रो | - | व**ज**न | - |
| **उतराचे शेवटाक** | व**च** | - | भ**जी** | - |

### 3.3.5 पार्श्वीक व्यंजनां

कारवारी बोलयेंत ‘ल्’ हें पार्श्वीक व्यंजन उतराचे सुरवातेक, मदीं आनी शेवटाक येता पूण ‘ळ्’ हें पार्श्वीक व्यंजन उतराचे सुरवातेक येना. तें फकत उतराचे मदीं आनी शेवटाक येता.

देखीक:

**तकटो क्र. 3.13 - पार्श्वीक व्यंजनां**

| **व्यंजन** | **ल्** | **ळ्** |
|---|---|---|
| **ओंठये/दांतये/ दांत-ओंठये/दांतमुळये/ताळवे/ मोवताळवे/ मुर्धन्य/ स्वासदारीय** | दांतमुळये | मूर्धन्य |
| **घोश/अघोश** | घोश | घोश |
| **उतराचे सुरवेक** | **ला**डू | **-** |
| **उतराचे मदीं** | बे**ल**ग | दा**ळीं**ब |

| | | |
|---|---|---|
| **उतराचे शेवटाक** | **पेलो** | काजळ |

### 3.3.6 कंपनयुक्त व्यंजन

कारवारी बोलयेंत 'र्' हें कंपनयुक्त व्यंजन उतराचे सुरवातेक, मदीं आनी शेवटाक येता. देखीक:

**तकटो क्र. 3.14 - कंपनयुक्त व्यंजन**

| **व्यंजन** | **र्** |
|---|---|
| **ओंठये/दांतये/ दांत-ओंठये/दांतमुळये/ताळवे/ मोवताळवे/ मूर्धन्य/ स्वासदारीय** | दांतमुळये |
| **घोश/अघोश** | अघोश |
| **उतराचे सुरवेक** | **राग** |
| **उतराचे मदीं** | कारा**ते** |
| **उतराचे शेवटाक** | **पोर** |

### 3.3.7 अर्दस्वर व्यंजनां

कारवारी बोलयेंत 'य' आनी 'व' हीं अर्दस्वरी व्यंजनां उतराचे सुरवातेक, मदीं आनी शेवटाक येता.

देखीक:

**तकटो क्र. 3.15 - अर्दस्वर व्यंजनां**

| **व्यंजन** | **य** | **व** |
|---|---|---|
| **ओंठये/दांतये/ दांत-ओंठये/दांतमुळये/ताळवे/ मोवताळवे/ मूर्धन्य/ स्वासदारीय** | ताळवे | दांतमुळये |
| **घोश/अघोश** | घोश | घोश |
| **उतराचे सुरवेक** | **य**ाद | **व**रकट |
| **उतराचे मदीं** | को**य**ती | क**वा**तो |
| **उतराचे शेवटाक** | संव**य** | मा**व** |

### 3.3.8 व्यंजन संधी (Consonant Cluster)

कारवारी बोलयेंत व्यंजन संधीन सुरू जाल्लीं उतरां, उतराचे मदीं व्यंजन संधी जावन तयार जाल्लीं उतरां तशेंच व्यंजन संधीन सोंपपीं उतरां घोळटात.

देखीक:

**तकटो क्र. 3.16 - व्यंजन संधी**

| **उतराचे सुरवेक** | **उतराचे मदीं** | **उतराचे शेवटाक** |
|---|---|---|
| **स्वप्न** | मु**स्क**ट | जा**स्त** |
| **स्व**भाव | आ**स्प**त्री | पर्य**न्त** |
| **म्हा**गेल | उ**स्तु**रो | चि**न्दी** |

## 3.4 अनुस्वार

अनुस्वार हो कोंकणी भाशेचो प्राण अशें म्हणटात पूण कारवारी कोंकणींत अनुस्वाराचो खूब कमी प्रमाणांत वापर जाल्लो दिश्टी पडटा. कारवारी कोंकणींत अनुनासीक उतरां चड प्रमाणांत घोळणात. देखीक: 'खरें' हें प्रमाण कोंकणींतलें अनुनासीक उतर कारवारी कोंकणींत 'खरे' अशें घोळटा जातूंत 'अं' स्वर वापरिल्लो मेळना. हेर कांय देखी अश्यो आसात:

**तकटो क्र. 3.17 - अनुस्वार**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| पांय | पाय |
| खंय | खय |
| थंय | थय |
| मडें | मडे |
| फांती | फाती |
| रूं | रू |

### 3.4.1 वचनांत अनुस्वार

प्रमाण कोंकणींत मोन्या 'अ' स्वरान सोंपपी अलिंगी एकवचनी नाम भोववचनांत 'आं' स्वरान सोंपतात पूण कारवारी कोंकणींत मोन्या 'अ' स्वरान सोंपपी अलिंगी एकवचनी नाम भोववचनांत 'आ' स्वरान सोंपतात. देखीक: प्रमाण कोंकणींत 'फळ' हें मोन्या 'अ' स्वरान सोंपपी अलिंगी एकवचनी नाम जावन आसा जाका 'आं' स्वर लागून ताचें भोववचन 'फळां' अशें जाता. जाल्यार

कारवारी कोंकणींत ‘फळ’ ह्या मोन्या ‘अ’ स्वरान सोंपपी अलिंगी एकवचनी नामाक ‘आं’ हो अनुनासीक स्वर लागनासतना ‘आ’ हो स्वर लागता आनी ताचें भोववचन ‘फळा’ अशें जाता. हेर कांय देखी अश्यो आसात:

**तकटो क्र. 3.18 - वचनांत अनुस्वार**

| **प्रमाण कोंकणी** | | **कारवारी कोंकणी** | |
|---|---|---|---|
| **एकवचन** | **भोववचन** | **एकवचन** | **भोववचन** |
| झाड | झाडां | झाड | झाडा |
| फूल | फुलां | फूल | फुला |
| पान | पानां | पान | पाना |
| घर | घरां | घर | घरा |
| तोर | तोरां | तोर | तोरा |
| शेत | शेतां | शेत | शेता |

### 3.4.2 लिंगांत अनुस्वार

प्रमाण कोंकणींतल्या वाक्य रचनेंत अलिंगी नामाच्या सोंपत्या क्रियापदांत अनुस्वार येता पूण कारवारी कोंकणी बोलयेंतल्या वाक्य रचनेंत अलिंगी नामाच्या सोंपत्या क्रियापदांत अनुस्वार येना. देखीक:

**तकटो क्र. 3.19 - लिंगांत अनुस्वार**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| पेर पडलें. | पेर पडले. |
| बाय रडलें. | बाय रडले. |
| चित्र काडलें. | चित्र काडले. |
| लग्न जालें. | लग्न जाले. |
| पुस्तक दिलें. | पुस्तक दिले. |
| मेज पुसलें. | मेज पुसले. |

### 3.4.3 क्रियापदांत अनुस्वार

प्रमाण कोंकणींत सकर्मक क्रियापद आशिल्ल्या वाक्यांत कर्म अलिंगी आसत जाल्यार ताका अन्वय जावपी क्रियापदाचेर अनुस्वार येता पूण कारवारी बोलयेंत कर्म जरी अलिंगी नामाचें आसत जाल्यार लेगीत ताका अन्वय जावपी क्रियापदाचेर अनुस्वार येना.

देखीक:

**तकटो क्र. 3.20 - क्रियापदांत अनुस्वार**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| तें कापड दिलें. | ते कापड दिले. |
| तें काम केलें. | ते काम केले. |
| तें गणीत सोडयलें. | ते गणीत सोडयले. |

| | |
|---|---|
| तें मीठ उडयलें. | ते मीट उडयले. |
| तें तूप लायलें. | ते तूप लायले. |
| तें पुस्तक दवरलें. | ते पुस्तक दवरले. |

### 3.4.4 सर्वनामांत अनुस्वार

प्रमाण कोंकणी बोलयेंत अशीं कांय सर्वनामां आसात जीं मुळांतच अनुनासीक आसात पूण कारवारी बोलयेंत तीं अनुस्वारा बगर घोळटात.

देखीक:

**तकटो क्र. 3.21 - सर्वनामांत अनुस्वार**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| तूं | तू |
| तें | ते |
| तीं | ती |
| हें | हे |
| हीं | ही |

## 3.5 अल्पप्राण – म्हाप्राण

प्रमाण कोंकणी बोलयेंत जीं उतरां म्हाप्राणांत सुरू जातात तीं उतरां कारवारी बोलयेंत लेगीत म्हाप्राणांतल्यानच सुरू जातात. देखीक: प्रमाण कोंकणींत 'घ' ह्या म्हाप्राणांत सुरू जावपी 'घट' हें उतर कारवारी बोलयेंत लेगीत 'घ' ह्याच म्हाप्राणांतल्यान सुरू जाता. हेर कांय देखी अश्यो आसात:

**तकटो क्र. 3.22.1 - अल्पप्राण-म्हाप्राण**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| खाट | खाट |
| घर | घर |
| झाड | झाड |
| धग | धग |
| थंड | थंड |
| भूक | भूक |

प्रमाण कोंकणी बोलयेंत जीं उतरां म्हाप्राणांत सोंपतात तीं उतरां जेन्ना कारवारी कोंकणी बोलयेंत घोळटात तेन्ना तीं अल्पप्राणांत सोंपतात. देखीक: प्रमाण कोंकणी बोलयेंत 'ठ' ह्या म्हाप्राणांत सोंपपी 'ऊठ' हें उतर जेन्ना कारवारी कोंकणी बोलयेंत घोळटा तेन्ना तें 'ट' ह्या अल्पप्राणांत सोंपता. हेर कांय देखी अश्यो आसात:

**तकटो क्र. 3.22.2 - अल्पप्राण-म्हाप्राण**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| पाल**खी** | पाल**की** |
| दीर्**घ** | दीर्**ग** |
| चव**थ** | चव**त** |
| पा**ठ** | पा**ट** |
| वि**धी** | वि**दी** |
| गा**भो** | गा**बो** |

कारवारी बोलयेच्या स्वनीमविचाराचो आनीक खोलायेन विचार आनी संशोधन जावं येता पूण वेळाचे मर्यादेक लागून तो करूंक ना. ह्या अभ्यासाच्या फुडल्या प्रकरणांत कारवारी बोलयेच्या पदविचाराचो अभ्यास केला. तातूंत कारवारी बोलयेची प्रमाण कोंकणी बोलये कडेन तुळा करून पद-विचारांत मेळपी वेगळेपणाचो आनी सारकेपणाचो अभ्यास देखी सयत मांडला.

# प्रकरण 4: पदविचार - वर्णन आनी विश्लेशण

प्रस्तूत प्रकरणांत पदविचार ह्या व्याकरण विचाराच्या म्हत्वाच्या फांट्याचो अभ्यास कारवारी बोलयेच्या संदर्भांत मांडला. कारवारी कोंकणीची प्रमाण कोंकणी कडेन तुळा करून पद-विचारांत मेळपी वेगळेपणाचो आनी सारकेपणाचो अभ्यास देखी सयत ह्या प्रकरणांत मांडला.

## 4.1.1 पदविचार (Morphology)

पदविचार हो व्याकरण विचाराचो म्हत्वाचो फांटो. हातूंत उतराचे बांदावळीचो अभ्यास जाता. एखादें अर्थपूर्ण उतर घडपाक नादांचो आदार लागता. मेकळ्या नादांक अर्थ नासता पूण नादांच्या अर्थपूर्ण रचणुकेच्या आदारान घडिल्ल्या उतरांक अर्थ आसता.

पदविचाराक इंग्लीशींत मॉर्फोलॉजी (Morphology) अशेंय म्हणटात. मॉर्फोलॉजी हें मूळ ग्रीक उतर जें 'मॉर्फ' आनी '-ओलॉजी' ह्या दोन उतरांच्या संयोगांतल्यान घडलां. 'मॉर्फ' म्हणल्यार रूप वा आकार जाल्यार '-ओलॉजी' म्हणल्यार एखाद्या गजालीचो अभ्यास करप. 1859 वर्सा जर्मन भासशास्त्रज्ञ ऑगस्ट श्लेइचर (August Schleicher) हाणें सगळ्यांत पयलीं मॉर्फोलॉजीक भासविज्ञानाचो फांटो अशें म्हणलां. मरियम वेबस्टर अनअब्रिज्ड (Merriam Webster

Unabridged) कोशा प्रमाण: “morphology is a study of the structure or form of something.” (https://www.merriam-webster.com/dictionary/morphology)

(स्वैर अणकार: पद-विचार म्हणल्यार एखाद्या वस्तूचे रचणुकेचो वा स्वरुपाचो अभ्यास.)

पदविचार हो व्याकरणाच्या वेगवेगळ्या घटकां मदलो एक संपर्क अशें विधान भासशास्त्रज्ञांनी मांडलां. तो स्वतंत्र घटक म्हूण अस्तित्वांत ना. शब्दांच्या रचणुकेचो अभ्यास आशिल्ल्यान तो भाशेच्या हेर जायत्या घटकांक जोडपाचें काम करता.

### 4.1.2 रुपीम (Morpheme)

रुपीम हो अर्थ आशिल्लो भाशेचो सगळ्यांत ल्हान घटक. मेकळें रुपीम(free morpheme) आनी बंदें रुपीम (bound morpheme) हे ताचे दोन मुखेल प्रकार . मेकळीं रुपिमां भाशेंत स्वतंत्रपणान घोळटात जाल्यार बंदी रुपिमां हेर रुपिमांच्या वांगडाच घोळटात. मेकळीं रुपिमां दोन तरांची आसतात. शब्दावली रुपीम (lexical morpheme) आनी व्याकरणीक रुपीम (grammatical morpheme). तशेंच बंदी रुपिमांय दोन तरांची आसतात. व्युत्पत्ती रुपीम (derivational morpheme) आनी विभक्ती रुपीम (inflection morpheme).

### 4.1.3 रुपिका (Morphs)

भाशेंत प्रत्यक्षांत घोळपी रुपिमाक रुपिका अशें म्हणटात. रुपिका हो शब्दाचो बरयल्लो वा उच्चारिल्लो भाग आसता. रुपिकांय रुपिमां सारकीं दोन तरांची आसतात. मेकळीं (free) आनी बंदी (bound) रुपिकां. मेकळीं रुपिकां भाशेंत मेकळेपणान घोळटात जाल्यार बंदी रुपिकां मेकळेपणान घोळनात.

### 4.2 निमण्या स्वर आनी व्यंजनाचें गळप

प्रमाण कोंकणींत अशीं कांय उतरां आसात जीं जेन्ना कारवारी कोंकणींत येतात तेन्ना तातूंतलो निमणो स्वर आनी व्यंजन गळटा.

देखीक:

**तकटो क्र. 4.1 - निमण्या स्वर आनी व्यंजनाचें गळप**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| म्हाका | म्हाक |
| तुका | तूक |
| हाडूंक | हाडू |
| घालूंक | घालू |
| वचूंक | वचू |

वयल्या देखींनी, प्रमाण कोंकणींतलीं ‘म्हाका’, ‘तुका’ सारकीं सर्वनामां कारवारी कोंकणींत ‘म्हाक’, ‘तूक’ अशीं येतात जंय कारवारी कोंकणींत ‘आ’ स्वर गळिल्लो मेळटा. प्रमाण कोंकणींतलीं ‘हाडूंक’, ‘घालूंक’, ‘वचूंक’ सारकीं क्रियापदां कारवारी कोंकणींत ‘हाडू’, ‘घालू’, ‘वचू’ अशीं येतात जंय ‘क’ हें व्यंजन आनी अनुनासीक गळिल्लें आसा.

## 4.3 सर्वनाम

सर्वनाम लिंग आनी वचन हांचे प्रमाण बदलतां. सर्वनामाचे मुखेलपणान पांच प्रकार आसात:- पुरूश सर्वनाम, दर्शक सर्वनाम, संबंदी सर्वनाम, प्रस्नार्थी सर्वनाम आनी आत्मवाचक सर्वनाम.

### 4.3.1 पुरूश सर्वनाम

सुरेश बोरकार आपल्या ‘कोंकणी व्याकरण’ ह्या पुस्तकांत पुरूश सर्वनामा विशीं म्हणटात:

> “मनीस आपणाक लेखून उलयता तेन्ना तो ‘हांव’ म्हणटा. तो दुसऱ्या कडेने ताकाच लेखून उलयता तेन्ना तो ‘तूं’ म्हणटा. तो तिसऱ्याक लेखून उल्यता तेन्ना तो ताका ‘तो’ म्हणटा. उलोवपी ‘हांव’ हाका व्याकरणांत पयलो पुरूश (प्रथम पुरुष) म्हणटात. जाचे कडे उलयता तो ‘तूं’ हाका दुसरो पुरूश (द्वितीय पुरुष) म्हणटात. जाचे विशीं उलयता तो ‘तो’ हाका

तिसरो पुरूश (तृतीय पुरुष) म्हणटात. हांव, तूं, तो हीं सर्वनामां. तीं पुरूश दाखयतात म्हणून तांकां पुरूश सर्वनामां म्हणटात.” (बोरकार,132)

‘हांव’, ‘तूं’, ‘तो’, ‘ती’, ‘तें’, ‘आमी’, ‘तुमी’, ‘ते’, ‘त्यो’ आनी ‘तीं’ हीं पुरूश सर्वनामांच्यो देखी. हीं सर्वनामां लिंग आनी वचना प्रमाण बदलतात.

### अ.) पुरूश सर्वनाम- पुरूशलिंगी

प्रमाण कोंकणींत ‘तूं’ हें दुसरो पुरुशी एकवचनी सर्वनाम. कारवारी बोलयेंत ताचो उपेग ‘तू’ असो करतात. कारवारी कोंकणींतल्या ह्या दुसरो पुरुशी एकवचनी सर्वनामाचेर अनुस्वार येना. हें सोडल्यार प्रमाण कोंकणीच्या आनी कारवारी कोंकणीच्या हेर पुरूशलिंगी पुरूश सर्वनामांनी आनीक कसलोच फरक ना. देखीक:

**तकटो क्र. 4.2 - पुरूश सर्वनाम- पुरूशलिंगी**

| | **प्रमाण कोंकणी** | | **कारवारी कोंकणी** | |
|---|---|---|---|---|
| | एकवचन | भोववचन | एकवचन | भोववचन |
| पयलो पुरूश | हांव | आमी | हांव | आमी |
| दुसरो पुरूश | **तूं** | तुमी | **तू** | तुमी |
| तिसरो पुरूश | तो | ते | तो | ते |

### ब.) पुरूश सर्वनाम- स्त्रीलिंगी

प्रमाण कोंकणींत ‘तूं’ हें दुसरो पुरुशी एकवचनी सर्वनाम. कारवारी बोलयेंत ताचो उपेग ‘तू’ असो करतात. कारवारी कोंकणींतल्या ह्या दुसरो पुरुशी एकवचनी सर्वनामाचेर अनुस्वार येना.

प्रमाण कोंकणींत ‘त्यो’ हें तिसरो पुरुशी भोववचनी सर्वनाम. कारवारी बोलयेंत ताचो उपेग ‘ते’ असो करतात. हे दोन फरक सोडल्यार प्रमाण कोंकणीच्या आनी कारवारी कोंकणीच्या हेर स्त्रीलिंगी पुरूश सर्वनामांनी आनीक कसलोच फरक ना. देखीक:

**तकटो क्र. 4.3 - पुरूश सर्वनाम- स्त्रीलिंगी**

| | **प्रमाण कोंकणी** | | **कारवारी कोंकणी** | |
|---|---|---|---|---|
| | एकवचन | भोववचन | एकवचन | भोववचन |
| पयलो पुरूश | हांव | आमी | हांव | आमी |
| दुसरो पुरूश | **तूं** | तुमी | **तू** | तुमी |
| तिसरो पुरूश | ती | **त्यो** | ती | **ते** |

### क.) पुरूश सर्वनाम- अलिंगी

प्रमाण कोंकणींत ‘तूं’ हें दुसरो पुरुशी एकवचनी सर्वनाम. कारवारी बोलयेंत ताचो उपेग ‘तू’ असो करतात. कारवारी बोलयेंतल्या ह्या दुसरो पुरुशी एकवचनी सर्वनामाचेर अनुस्वार येना.

प्रमाण कोंकणींत ‘तें’ हें तिसरो पुरुशी एकवचनी सर्वनाम. कारवारी बोलयेंत ताचो उपेग ‘ते’ असो करतात. तेच भशेन  प्रमाण कोंकणींत ‘तीं’ हें तिसरो पुरुशी भोववचनी सर्वनाम. कारवारी ताचो उपेग ‘ते’ असो करतात. हे फरक सोडल्यार प्रमाण कोंकणीच्या आनी कारवारी कोंकणीच्या हेर अलिंगी पुरूश सर्वनामांनी आनीक कसलोच फरक ना.

देखीक:

**तकटो क्र. 4.4 - पुरूश सर्वनाम- अलिंगी**

| | **प्रमाण कोंकणी** | | **कारवारी कोंकणी** | |
|---|---|---|---|---|
| | एकवचन | भोववचन | एकवचन | भोववचन |
| पयलो पुरूश | हांव | आमी | हांव | आमी |
| दुसरो पुरूश | **तूं** | तुमी | **तू** | तुमी |
| तिसरो पुरूश | **तें** | **तीं** | **ते** | **ते** |

**4.3.2 दर्शक सर्वनाम**

कोणाकूय वा कितेंय दाखोवपाक जें सर्वनाम वापरतात ताका दर्शक सर्वनाम अशें म्हणटात. हीं सर्वनामां तिसरो पुरूशी आसतात. ‘हो’ ‘ही’ ‘हें’, ‘हे’, ‘ह्यो’, ‘हीं’, ‘तो’, ‘ती’, ‘तें’, ‘ते’, ‘त्यो’ आनी ‘तीं’ हीं दर्शक सर्वनामांच्यो देखी. हीं सर्वनामां लिंग आनी वचना प्रमाण बदलतात.

प्रमाण कोंकणींत 'ह्यो' आनी 'त्यो' हीं स्त्रीलिंगी भोववचनी दर्शक सर्वनामां जेन्ना कारवारी कोंकणींत येता तेन्ना तीं 'हे' आनी 'ते' जातात. प्रमाण कोंकणींत 'हें' आनी 'तें' हीं अलिंगी एकवचनी दर्शक सर्वनाम जेन्ना कारवारी कोंकणींत येतात तेन्ना तीं 'हे' आनी 'ते' जातात. कारवारी कोंकणींतल्या अलिंगी एकवचनी दर्शक सर्वनामांचेर अनुस्वार येना. तेच भशेन प्रमाण कोंकणींत 'हीं' आनी 'तीं' हीं अलिंगी भोववचनी दर्शक सर्वनामां जेन्ना कारवारी कोंकणींत येता तेन्ना तीं 'हे' आनी 'ते' जातात. हे फरक सोडल्यार प्रमाण कोंकणीच्या आनी कारवारी कोंकणीच्या हेर दर्शक सर्वनामांनी कसलोच फरक ना. देखीक:

**तकटो क्र. 4.5.1 - दर्शक सर्वनाम (हो)**

| | **प्रमाण कोंकणी** | | **कारवारी कोंकणी** | |
|---|---|---|---|---|
| | एकवचन | भोववचन | एकवचन | भोववचन |
| पुरूशलिंग | हो | हे | हो | हे |
| स्त्रीलिंग | ही | **ह्यो** | ही | **हे** |
| अलिंग | **हें** | **हीं** | **हे** | **हे** |

**तकटो क्र 4.5.2 - दर्शक सर्वनाम (तो)**

| | **प्रमाण कोंकणी** | | **कारवारी कोंकणी** | |
|---|---|---|---|---|
| | एकवचन | भोववचन | एकवचन | भोववचन |
| पुरूशलिंग | तो | ते | तो | ते |
| स्त्रीलिंग | ती | **त्यो** | ती | **ते** |
| अलिंग | **तें** | **तीं** | **ते** | **ते** |

**4.3.3 संबंदी सर्वनाम**

जें सर्वनाम संबंद दाखयता ताका संबंदी सर्वनाम म्हणटात. हीं सर्वनामां तिसरो पुरूशी आसतात. ‘जो’ ‘जी’ ‘जें’, ‘जे’, ‘ज्यो’ आनी ‘जीं’ हीं दर्शक सर्वनामांच्यो देखी. हीं सर्वनामां लिंग आनी वचना प्रमाण बदलतात.

प्रमाण कोंकणींत ‘ज्यो’ हें स्त्रीलिंगी भोववचनी संबंदी सर्वनाम जेन्ना कारवारी कोंकणींत येता तेन्ना तें ‘जे’ जाता. प्रमाण कोंकणींत ‘जें’ हें अलिंगी एकवचनी संबंदी सर्वनाम जेन्ना कारवारी कोंकणींत येता तेन्ना तें ‘जे’ जाता. कारवारी कोंकणींतल्या अलिंगी एकवचनी संबंदी सर्वनामाचेर अनुस्वार येना. तेच भशेन प्रमाण कोंकणींत ‘जीं’ हें अलिंगी भोववचनी संबंदी सर्वनाम जेन्ना कारवारी कोंकणींत येता तेन्ना तें ‘जे’ जाता. हे फरक सोडल्यार प्रमाण कोंकणीच्या आनी कारवारी कोंकणीच्या हेर संबंदी सर्वनामांनी कसलोच फरक ना.

देखीक:

**तकटो क्र. 4.6 - संबंदी सर्वनाम (जो)**

| | **प्रमाण कोंकणी** | | **कारवारी कोंकणी** | |
|---|---|---|---|---|
| | एकवचन | भोववचन | एकवचन | भोववचन |
| पुरूशलिंग | जो | जे | जो | जे |
| स्त्रीलिंग | जी | **ज्यो** | जी | **जे** |

| | | | | |
|---|---|---|---|---|
| अलिंग | **जें** | **जीं** | **जे** | **जे** |

### 4.3.4 प्रस्नार्थी सर्वनाम

जें सर्वनाम प्रस्न विचारपाक वापरतात ताका प्रस्नार्थी सर्वनाम म्हणटात. कोण आनी कितें ह्यो प्रस्नार्थी सर्वनामांच्यो देखी. प्रमाण कोंकणींत आनी कारवारी कोंकणींत 'कोण' हें प्रस्नार्थी सर्वनाम तिनूय लिंगांनी आनी दोनूय वचनांनी एक सारकेंच उरता जाल्यार 'कितें' हें प्रस्नार्थी सर्वनाम अलिंगीच उरता. प्रमाण कोंकणींतलें 'कितें' हें प्रस्नार्थी सर्वनाम कारवारी कोंकणींत 'कीत' अशें घोळटा जंय 'एं' हें स्वर गळ्ळां.

देखीक:

**तकटो क्र. 4.7.1 - प्रस्नार्थी सर्वनाम (कोण)**

| | **प्रमाण कोंकणी** | | **कारवारी कोंकणी** | |
|---|---|---|---|---|
| | एकवचन | भोववचन | एकवचन | भोववचन |
| पुरूशलिंग / स्त्रीलिंग/ अलिंग | कोण | कोण | कोण | कोण |

**तकटो क्र. 4.7.2 - प्रस्नार्थी सर्वनाम (कितें)**

| | **प्रमाण कोंकणी** | | **कारवारी कोंकणी** | |
|---|---|---|---|---|
| | एकवचन | भोववचन | एकवचन | भोववचन |
| अलिंग | कितें | कितें | कीत | कीत |

### 4.3.5 आत्मवाचक सर्वनाम

जें सर्वनाम स्वताचो उल्लेख करपा खातीर वापरतात ताका आत्मवाचक सर्वनाम अशें म्हण्टात. 'आपूण' आनी 'स्वता' हीं आत्मवाचक सर्वनामांच्यो देखी. हीं सर्वनामां तिनूय लिंगांनी आनी दोनूय वचनांनी मेळटा. प्रमाण कोंकणींत आनी कारवारी कोंकणींत 'आपूण' हें आत्मवाचक सर्वनाम एक सारकेंच आसा.

### 4.3.6 सर्वनामांक लागपी वेगळें कूस

अ.) प्रमाण कोंकणी आनी कारवारी कोंकणीच्या सर्वनामांक लागपीं कुसां मदीं खूब वेगळेंपण आसा. प्रमाण कोंकणींत 'चे' वा 'जे' कुसान सोंपपी सर्वनामां कारवारी कोंकणींत 'गेल' ह्या कुसान सोंपतात. देखीक:

**तकटो क्र. 4.8.1 - सर्वनामांक लागपी वेगळें कूस**

| **प्रमाण कोंकणी** | **कारवारी कोंकणी** |
|---|---|
| तुम**चे** | तुम**गेल** |
| आम**चे** | आम**गेल** |
| तु**जे** | तु**गेल** |

आ.) प्रमाण कोंकणींत 'आ' स्वरान सुरू जावपी सर्वनाम जेन्ना कारवारी कोंकणींत येतात तेन्ना 'आ' स्वर 'ए' स्वरान बदलता आनी शेवटाक 'चे' वाट्याचें 'गेल'हें कूस लागता. देखीक:

**तकटो क्र. 4.8.2 - सर्वनामांक लागपी वेगळें कूस**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| ताचे | तेगेल |
| हाचे | हेगेल |
| जाचे | जेगेल |

इ.) प्रमाण कोंकणींत 'आं' स्वरान सुरू जावपी सर्वनाम जेन्ना कारवारी कोंकणींत येता तेन्ना तातूंतलो 'आ' स्वर 'ए' स्वरान बदलता आनी अनुस्वार जो 'न' ह्या व्यंजना खातीर आशिल्लो तो 'म' ह्या व्यंजनात बदलता आनी शेवटाक 'चे' वाट्याचें 'गेल' हें कूस लागता. देखीक:

**तकटो क्र. 4.8.3 - सर्वनामांक लागपी वेगळें कूस**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| तांचे | तेमगेल |
| हांचे | हेमगेल |
| जांचे | जेमगेल |

### 4.3.7 कृदंत

प्रमाण कोंकणींत 'ऊन' हें कृदंत लागून सोंपपी क्रियापदां जेन्ना कारवारी कोंकणींत येतात तेन्ना तातूंतलो 'ऊ' स्वर गळटा आनी 'न्' हें व्यंजन निमण्या 'न' अक्षराक लागता.

देखीक:

**तकटो क्र. 4.9 - कृदंत**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
| --- | --- |
| घालून | घालन्न |
| काडून | काडन्न |
| दवरून | दवरन्न |
| ओडून | ओडन्न |

### 4.3.8 वचन

वस्तू एक आसा वा जायतीं आसात हें दाखोवपी शब्दाच्या गुणधर्माक व्याकरणांत वचन अशें म्हण्टात. कोंकणींत वचनाचे दोन प्रकार आसात. एकवचन आनी भोववचन.

**अ.) पुरूशलिंगी नामाचें भोववचन**

प्रमाण कोंकणींत मोन्या 'अ' स्वरान सोंपपी पुरूशलिंगी नामांत जर धांपिल्लो 'ए' वा 'ओ' स्वर आसा जाल्यार ताचो उच्चार भोववचनांत उक्तो जाता पूण कारवारी कोंकणींत मोन्या 'अ' स्वरान सोंपपी पुरूशलिंगी नामांत जर धांपिल्लो 'ए' वा 'ओ' स्वर आसा जाल्यार ताचो उच्चार भोववचनांत उक्तो जायना.

देखीक:

**तकटो क्र. 4.10 - पुरूशलिंगी नामाचें भोववचन**

| प्रमाण कोंकणी | | कारवारी कोंकणी | |
|---|---|---|---|
| **एकवचन** | **भोववचन** | **एकवचन** | **भोववचन** |
| चोर | चोर | चोर | चोर |
| देर | देर | देर | देर |
| मोर | मोर | मोर | मोर |
| मेळ | मेळ | मेळ | मेळ |
| कोण | कोण | कोण | कोण |

**ब.) स्त्रीलिंगी नामाचें भोववचन**

अ.) प्रमाण कोंकणींत ‘ई’ स्वरान सोंपपी दोन अक्षरी स्त्रीलिंगी नामाचें भोववचन घडटना उतर ‘अ’ स्वरी जाता आनी मागीर ‘यो’ कूस ताका लागता आनी ‘अ’ स्वरान मोटवो उरता पूण कारवारी कोंकणींत ‘ई’ स्वरान सोंपपी दोन अक्षरी स्त्रीलिंगी नामाचें भोववचन घडटना कसलोच बदल जायना.

देखीक:

**तकटो क्र. 4.11.1 - स्त्रीलिंगी नामाचें भोववचन**

| प्रमाण कोंकणी | | कारवारी कोंकणी | |
|---|---|---|---|
| **एकवचन** | **भोववचन** | **एकवचन** | **भोववचन** |
| काणी | काण**यो** | काणी | का**णी** |
| फांती | फांत**यो** | फाती | फा**ती** |
| ताळी | ताळ**यो** | ताळी | ता**ळी** |
| काडी | काड**यो** | काडी | का**डी** |
| साडी | साड**यो** | साडी | सा**डी** |

आ.) प्रमाण कोंकणींत ‘ई’ स्वरान सोंपपी दोना परस चड अक्षरी स्त्रीलिंगी नामाचें भोववचन घडटना शेवटचो ‘अ’ स्वर अर्दो जाता आनी उपरांत ताका ‘यो’ कूस लागता पूण कारवारी कोंकणींत ‘ई’ स्वरान सोंपपी दोना परस चड अक्षरी स्त्रीलिंगी नामाचें भोववचन घडटना कसलोच बदल जायना.

देखीक:

**तकटो क्र. 4.11.2 - स्त्रीलिंगी नामाचें भोववचन**

| प्रमाण कोंकणी | | कारवारी कोंकणी | |
|---|---|---|---|
| **एकवचन** | **भोववचन** | **एकवचन** | **भोववचन** |
| मावशी | मावश्**यो** | मावशी | माव**शी** |
| जाणटी | जाणट्**यो** | जाणटी | जाण**टी** |

| | | | |
|---|---|---|---|
| पणटी | पणट्**यो** | पणटी | पण**टी** |
| बोकडी | बोकड्**यो** | बोकडी | बोक**डी** |
| पुरणपोळी | पुरणपोळ्**यो** | पुरणपोळी | पुरणपो**ळी** |

इ.) प्रमाण कोंकणींतलीं कांय स्त्रीलिंगी नाम जीं 'अय', 'अंय', 'आय', आंय, 'ऊय', 'ऊंय', 'ओय', 'ओंय' सारक्या संधीस्वरांनी सोंपतात तीं भोववचनांत 'ओ' स्वरान सोंपतात पूण कारवारी कोंकणींतलीं कांय स्त्रीलिंगी नाम जीं 'अय', 'अंय', 'आय', आंय, 'ऊय', 'ऊंय', 'ओय', 'ओंय' सारक्या संधीस्वरांनी सोंपतात तीं भोववचनांत फरक दाखयनात. देखीक:

**तकटो क्र. 4.11.3 - स्त्रीलिंगी नामाचें भोववचन**

| **प्रमाण कोंकणी** | | **कारवारी कोंकणी** | |
|---|---|---|---|
| **एकवचन** | **भोववचन** | **एकवचन** | **भोववचन** |
| सय | स**यो** | सय | स**य** |
| वंय | वं**यो** | वंय | वं**य** |
| गाय, दाय | गा**यो**, दा**यो** | गाय, दाय | गा**य**, दा**य** |
| मांय, बांय | मां**यो**, बां**यो** | माय, भांय | मा**य**, भां**य** |
| भूंय | भुं**यो** | भूंय | भूं**य** |
| सूय | सु**यो** | सूय, मूय | सू**य**, मू**य** |
| पोंय | पों**यो** | पोंय | पों**य** |

### 4.3.9 ‘वि’ ते ‘इ’ बदल

प्रमाण कोंकणींत ‘वि’ अक्षरान सुरू जावपी नामां वा क्रियापदां जेन्ना कारवारी कोंकणींत येतात तेन्ना तातूंतलें ‘व’ गळटां आनी तीं नामां वा क्रियापदां ‘इ’ स्वरान सुरू जातात. देखीक:

**तकटो क्र. 4.12 - ‘वि’ ते ‘इ’ बदल**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| विमान | इमान |
| विडी | इडी |
| विडो | इडो |
| विचप | इचप |
| विणप | इणप |

### 4.3.10 एका परस चड अर्थ आशिल्लीं उतरां

कारवारी कोंकणींत अशीं कांय उतरां आसात जांकां एका परस चड अर्थ आसात.

देखीक:

**तकटो क्र. 4.13 - एका परस चड अर्थ आशिल्लीं उतरां**

| उतर | अर्थ 1 | अर्थ 2 |
|---|---|---|
| मांड | पवित्र सुवात | दुकान |
| आंबट | कडी | आंबट (रूच) |

| | | |
|---|---|---|
| वाट | रस्तो/मार्ग | विभागणी करप |
| मेज (मॅज) | मेज (मदेर) | गणना करप |
| घाट | दोंगराचो घाट | पुजेची घांट |
| आंबाडो | फळ | केंसाचो आंबाडो |
| शेव | खावपाचो शेव | शेताचो भाग |
| माव | सासपाय | पणसाची माव |

### 4.3.11 हेर भासांतली उतरावळ

कारवारी बोलयेंत कन्नड, मराठी, फारसी-अरबी तशेंच पुर्तुगेज भासांतली उतरावळ घोळटा.

देखीक:

**तकटो क्र. 4.14 - हेर भासांतली उतरावळ**

| कन्नड | मराठी | फारसी-अरबी | पुर्तुगेज |
|---|---|---|---|
| आण्णा | मस्त | अब्रू | मेज |
| आक | खोटे | बक्षीस | परात |
| चील | तास | कुलप | वरांडो |
| आत्या | जास्त | सायब | आलमार |

कारवारी बोलयेच्या पदविचाराचो आनीक खोलायेन विचार आनी संशोधन जावं येता पूण वेळाचे मर्यादेक लागून तो करूंक ना. ह्या अभ्यासाच्या फुडल्या प्रकरणांत कारवारी बोलयेच्या वाक्यविचाराचो अभ्यास केला. तातूंत कारवारी बोलयेंतल्या वाक्याचे व्याकरणीक विश्लेशण आनी वर्गीकरण देखी सयत पळोवया.

# प्रकरण 5: वाक्यविचार - वर्णन आनी विश्लेशण

वाक्यविचार हो व्याकरण विचाराचो म्हत्वाचो फांटो. प्रस्तूत प्रकरणांत वाक्य-विचाराचो अभ्यास कारवारी बोलयेच्या संदर्भांत मांडला. कारवारी बोलयेची प्रमाण कोंकणी बोलये कडेन तुळा करून वाक्यविचारांत मेळपी वेगळेपणाचो आनी सारकेपणाचो अभ्यास देखी सयत ह्या प्रकरणांत मांडला. तशेंच म्हणींचें संकलन करून तांची अर्थावणी केल्ली आसा.

## 5.1 वाक्यविचार (Syntax)

वाक्याचें व्याकरणीक वर्गीकरण आनी विश्लेशण करपी व्याकरण विचाराच्या फांट्याक वाक्यविचार अशें म्हणटात. हातूंत वाक्यांचो शास्त्रीय पद्दतीन अभ्यास जाता तशेंच वाक्यां मदीं आशिल्ल्या बांदावळीच्या नात्यांचोय अभ्यास जाता. इंग्लीशींत ताका सिन्टैक्स (Syntax) म्हणटात. सिन्टैक्स हो शब्द पुर्विल्ल्या ग्रीक सुन्टैक्सीस (súntaxis) ह्या उतरा वयल्यान आयला.

बर्टन-रॉबर्ट्स (Burton-Roberts ) हाणें आपल्या 'ऐनलाइजींग सेन्टन्सीस : ऐन इन्ट्रोडक्शन टू इंग्लीश सिन्टैक्स' (Analysing Sentences : An introduction to English Syntax) ह्या पुस्तकाचे प्रस्तावनेंत वाक्य-विचाराची व्याख्या मांडल्या ती अशी:

"Syntax is traditionally the name given to the study of the form, positioning, and grouping, of the elements that go to make up sentences." (रॉबर्ट्स, 3)

(स्वैर अणकार: वाक्य तयार करपा खातीर लागपी घटकांचें रूप, तांची वाक्यांतली सुवात तशेंच हेर घटका कडेन जावपी तांच्या अन्वयाचो अभ्यास म्हणल्यार वाक्यविचार.)

### 5.1.1 वाक्य (Sentence)

"एक पूर्ण विचार उकतो करपी उतरांच्या पुंजुल्याक वाक्य म्हणटात." (बोरकार, 181) अशी वाक्याची संकल्पना सुरेश बोरकार हांणी आपल्या 'कोंकणी व्याकरण' ह्या पुस्तकांत स्पश्ट केल्या. कोंकणी वाक्य एका उतरांचें आसूं येता वा एका परस चड म्हणल्यार कितल्याय उतरांचें आसूं येता. वाक्याक दोन आंगां आसात:- कर्त्याचें आंग आनी क्रियापदाचें आंग.

वाक्यांची विभागणी रचणुकेचे आनी अर्थाचे नदरेन करूं येता. सादें वाक्य, जोड वाक्य आनी मिश्र वाक्य ही रचणुकेचे नदरेन केल्ली वाक्यांची विभागणी आसा जाल्यार विधानार्थी, प्रस्नार्थी, आज्ञार्थी आनी उमाळी वाक्य ही अर्थाचे नदरेन केल्ली वाक्यांची विभागणी आसा.

## 5.2 रचणुकेचे नदरेन वाक्यांच्यो जाती

### 5.2.1 सादीं वाक्यां

प्रमाण कोंकणी बोलयेंत तशेंच कारवारी बोलयेंत सादीं वाक्यां एकसारकींच आसात. वाक्यांतल्या कांय उतरांचो बोली भेद आनी उच्चारपाची शैली वेगळी आसा. देखीक:

**तकटो क्र. 5.1 - सादीं वाक्यां**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| तो काल आमगेर आयिल्लो. | तो काल आमगेर येल्लो. |
| हांव परवां कारवार वतलों. | हांव परा कारवार वयतलो. |
| म्हाका रांदूक आवडटा. | म्हाक रांदू आवडटा. |
| गोपाळ गोंयांत गेला. | गोपाळ गोंया गेला. |
| बाय झाडांक उदक घालता. | बाय झाडा उदा घालता. |

### 5.2.2 जोड वाक्यां

### अ.) संयोजक जोड वाक्यां

प्रमाण कोंकणी बोलयेंत तशेंच कारवारी बोलयेंत संयोजक जोड वाक्यां एकसारकींच आसात. वाक्यांतल्या कांय उतरांचो बोली भेद आनी उच्चारपाची शैली वेगळी आसा. देखीक:

**तकटो क्र. 5.2 - संयोजक जोड वाक्यां**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| तो भितर आयलो **आनी** ओगी अभ्यासाक बसलो. | तो भितर येलो **आनी** ओग्गी अभ्यासा बसलो. |
| रमेश सकाळीं उठलो, भाणाक उजो घालो **आनी** मागीर रानांत गेलो. | रमेश सकाळी उठलो, भाणा उज घायलो **आनी** मगीर राना गेलो. |

### ब.) विरोधदर्शी जोड वाक्यां

प्रमाण कोंकणी बोलयेंत तशेंच कारवारी बोलयेंत विरोधदर्शी जोड वाक्यां एकसारकींच आसात. वाक्यांतल्या कांय उतरांचो बोली भेद आनी उच्चारपाची शैली वेगळी आसा.

देखीक:

**तकटो क्र. 5.3 - विरोधदर्शी जोड वाक्यां**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| तूं तांगेर येवन गेलें **पूण** आमगेर येवंक ना. | तू तेमगेर येवन गेले **पूण** आमगेर येलना. |
| भूक लागिल्ली **पूण** जेवपाक जालें ना. | भूक लागिल्ली **पूण** जेउ जालना. |

### क.) पर्यायदर्शी जोड वाक्यां

प्रमाण कोंकणींतल्या पर्यायदर्शी जोड वाक्यांनी ‘नाजाल्यार’ वा ‘वा’ हीं पर्यायदर्शी जोड अव्ययां वापरिल्लीं मेळटात पूण कारवारी बोलयेंतल्या पर्यायदर्शी जोड वाक्यांनी प्रमाण कोंकणींत येवपी ‘वा’ हें पर्यायदर्शी जोड अव्यय वापरिल्लें मेळना. कारवारी बोलयेंत ‘नाजाल्यार’ वा ‘नातर’ हीं पर्यायदर्शी जोड अव्ययां वापरिल्लीं मेळटात.

देखीक:

**तकटो क्र. 5.4 - पर्यायदर्शी जोड वाक्यां**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| तूं यो **नाजाल्यार** हांव वता. | तू यो **नाजाल्यार** हांव वयता./ तू यो **नातर** हांव वयता. |
| रांदलां तें जेव **वा** उपाशी राव./ रांदलां तें जेव **नाजाल्यार** उपाशी राव. | रांदला ते जेव **नाजाल्यार** उपाशी राव./ रांदला ते जेव **नातर** उपाशी राव. |

**ड.) परिणामदर्शी जोड वाक्यां**

कारवारी बोलयेंतल्या परिणामदर्शी जोड वाक्यांनी प्रमाण कोंकणी बोलयेंत येवपी ‘देखून’ हें परिणामदर्शी जोड अव्यय वापरिल्लें मेळना पूण ताचें बदला ‘म्हण’ हें परिणामदर्शी जोड अव्यय वापरिल्लें मेळटा.

देखीक:

**तकटो क्र. 5.5 परिणामदर्शी जोड वाक्यां**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| तूं बरोबर आशिल्लो **देखून** म्हजें काम जालें. | तू बरोबर आशील **म्हण** म्हागेल काम जाले. |
| काल मास्तरान तापयल्लो **देखून** तो आयज शाळेक येवंक ना. | काल मास्तरान तापयल **म्हण** तो आज शाळे येलना. |

## 5.2.3 मिश्र वाक्यां

प्रमाण कोंकणी बोलयेंत तशेंच कारवारी बोलयेंत मिश्र वाक्यां एकसारकींच आसात. वाक्यांतल्या कांय उतरांचो बोली भेद आनी उच्चारपाची शैली वेगळी आसा.

देखीक:

**तकटो क्र. 5.6 - मिश्र वाक्यां**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| जशी आवय तशी धूव. | जश आवय तश धू. |
| जेन्ना हांव घरा येता, तूं नासता. | जेन्न हांव घर येता, तू नासता. |

## 5.3 अर्थाचे नदरेन वाक्यांच्यो जाती

प्रमाण कोंकणी बोलयेंत तशेंच कारवारी बोलयेंत विधानार्थी वाक्यां, आज्ञार्थी वाक्यां, उमाळीं वाक्यां आनी प्रस्नार्थीं वाक्यां एकसारकींच आसात. वाक्यांतल्या कांय उतरांचो बोली भेद आनी उच्चारपाची शैली वेगळी आसा.

देखीक:

### 5.3.1 विधानार्थीं वाक्यां

**अ.) हयकारी वाक्यां**

**तकटो क्र. 5.7 - हयकारी वाक्यां**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| ओंदू पावस खूब पडला. | ओंदू पावस खूब्ब पडला. |
| तो बरोबर उलयता. | तो बरोबर उलयता. |

**आ.) न्हयकारी वाक्यां**

**तकटो क्र. 5.8 - न्हयकारी वाक्यां**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| म्हज्यान हें आयकूं नजो. | म्हाज्यान हे आयकू नजो. |
| तुजो हात थंय पावचो ना. | तुगेल हात थय पावचो ना. |

### 5.3.2 प्रस्नार्थी वाक्यां

**अ.) हयकारी प्रस्नार्थी वाक्यां**

**तकटो क्र. 5.9 - हयकारी प्रस्नार्थी वाक्यां**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| **कोण** तुमी? | **कोण** तुमी? |
| **कितें** जाय आशिल्लें तुमकां? | **कीत** जाय आशील तुमका? |
| तूं **खंय** वता? | **तू खय** वयता? |
| अशें **कित्याक** करता? | अश **कित्या** करता? |

| | |
|---|---|
| **केन्ना** आयिल्लो तूं? | **केन्न** येल्ल तू? |
| **कोणाक** सोदतात तुमी? | **कोणा** सोदता तुमी? |

## आ.) न्हयकारी प्रस्नार्थीं वाक्यां

**तकटो क्र. 5.10 - न्हयकारी प्रस्नार्थीं वाक्यां**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| **कित्याक** तुमकां सांगिल्लें समजना? | **कित्या** तुमका सांगील समजना? |
| **कोण** तो येना म्हणटा? | **कोण** तो येन म्हणटा? |
| **कितें** अशें कळना? | **कीत** अश कळना? |
| **कित्याक** थंय आमी वचचें न्हय? | **कित्या** थय आमी वयचे न्ही? |

## 5.3.3 आज्ञार्थीं वाक्यां

**तकटो क्र. 5.11 - आज्ञार्थीं वाक्यां**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| आवाज बंद कर. | आवाज बंद कर. |
| म्हजें पुस्तक दी. | म्हागेल पुस्तक दी. |
| आयज घर बेगीन यो. | आज घर बेग्गी यो. |
| हें मामीक व्हरून दी. | हे मामे होन्न दी. |

### 5.3.4 उमाळीं वाक्यां

**तकटो क्र. 5.12 - उमाळीं वाक्यां**

| प्रमाण कोंकणी | कारवारी कोंकणी |
|---|---|
| **शाबास!** बरें काम केलें! | **शाबाश!** बर काम केले! |
| **शीं!** घाण वास! | **शी!** घाणी वास! |
| **अ रे रे !** तो सकयल पडलो! | **अ रे रे रे रे!** तो सकल पडलो! |
| **वा !** कितलो हुशार पोर! | **वा !** कितल हुशार पोर! |

### 5.4 कारवारी म्हणींचें संकलन आनी अर्थावणी

**आ**

1. आटव आनी शेर केन्ना आपणालोत व्होड.

   आपलींच मनशां श्रेश्ठ अशें मानप.

2. आप-पाप भटाल माथ्यार थाप.

   आपली चूक दुसऱ्याचेर घालप.

3. आपल्याल पोर दुसऱ्याल चोर.

   आपलो भुरगो बरो जाल्यार दुसऱ्याल्या भुरग्याक वायट थारावप.

**उ**

4. उश्टी पत्रावळ माडा आळ्यात.

   फायदो नाशिल्ल्या वस्तूंक कोण म्हत्व दिना.

5. उश्ट्या हातीन कावळ्याक आंबुडना.

   कंजूसपणां करप.

**क**

6. कट्टीभर सोऱ्याक कद्रा.

   इल्लशे गजालीक खूब कश्ट घेवप.

7. काट्यान कांटो काडचो.

   तश्याक तशें दिवप.

8. कान फूक म्हणल्यार वान फुकता

   एक गजाल करपाक सांगल्यार दुसरी भलतीच गजाल करप.

9. कीत करता काय ना, कीत हाडले काय ना.

   आपणांक कांयच खबर ना अशें वागप.

10.केल्ली कर्मा भोग बाळा.

आपल्या कर्माची ख्यास्त भोगप.

**घ**

11.घट्टन धुवू घटनार तायकुळो किल्लोवु.

सर्वनाश जावं अशें मागप.

12.घर जळळयार जळू, बुधो म्हागेल खेळू.

स्वताच्या लोकाच्या अपुरबाये खातीर कितलेय लुकसाण सोंसपाची तयारी.

13.घर भन्न दार ओत्ता आनी लक्ष्मी उदा भरता.

खूब समृद्धताय आसप.

**च**

14.चिमटी बी काडटा, पाळणे बी हालयता.

बरेंय करता आनी ख्यास्तूय दिता.

15.चूड दाखोवन म्हारू घरा हाडता.

मुद्दम जावन अरिश्टांक आपोवप.

**ज**

16.जावय न्ही धुवेल घोव.

परकेंपण दाखोवप.

17.जेयल्ले घरा वाशे मेत्ता.

मदत घेता ताची उणीं-दुणीं काडप.

**त**

18. तळें राखतलो उदा पिना आसतना रावता.

कश्ट करता ताका कांयच मेळना जावप.

19.तळपाया उजो मस्तका मारता.

खूब राग येवप.

20.तू मारले अश कर,हांव रडलशे करता.

नाटकां करप.

21.तूप खातल्याल रूप वेगळेत कळटा.

समृद्धताय आंगार झळकप.

22.तूप मिश्या लावन फिरता.

झेत दाखोवप.

23.तीर्थ पिलार थंडी, आर्त घेतलार गरमी.

अती नाजूक आसप.

**द**

24.दाय आसल्यार हात कोण लासून घेतात?

जी गजाल त्रास घेयनासतना करूं येता ती सहज करप.

25.दुदा तुपा लोळय काराते कोडू ते कोडू.

मनशाच्या मूळ सभावांत बदल केन्नाच जायना.

26.दुद्या वालीक दुदी जड न्ही.

आवयक आपलीं भुरगीं जड नासतात.

**ध**

27.धा जाणाली मासळी थंचे थंय कुसली.

जेन्ना खंयचेय वस्तीक वांटेकार चड आसतात तेन्ना कोणाकूच ती सारकी भोगूंक मेळना.

**न**

28.नवें नवें खांदार घेवचे, पोन्न जाले की वळणेर उडोवचे.

काळा प्रमाणें वागप.

**प**

29.पयली पोटोबा मगीर विटोबा.

जेवणा मुखार देवाक लेगीत फाटीं दवरप.

30.पर्तगाळीच्यान गोंय लागी.

बारीकशा येसा वयल्यान व्हड येस मेळ्ळा म्हण भासोवप.

31.पिंडक घरकार, कुकमाक आधार.

सोरो पिवपी घरकारा कडल्यान नांवा पुरतोच आदार मेळप.

32.पुराणातली वांयगी भाजे येनात.

काळा भायल्या गजालींक वर्तमानांत स्थान नासता.

33.पोरा घोळतली पोरा खातली.

भुरग्यांचो संवसार भुरगीं करतलीं.

34.पोळे काडतल्याले शेंबूड काडू जाय.

जो मनीस तुजे खातीर कश्ट करता ताका आदार दिवप.

**फ**

35.फातर फोडन्न उदा काडू जाय.

खूब कश्ट करपाक जाय.

36.फिर्न फिर्न कांटो बारार.

परत परत एकच गजालीं विशीं उलोवप.

**ब**

37.बकऱ्या कडेन मसालो विचारता?

जाचो गैर फायदो घेता ताकाच विचारप.

38.बसू दिल्ली म्हणय कपला मारता.

खंयची गजाल कित्याक वापरतात हाची जाण नासप.

39.बांयी तोंड बांदु येता न्हंयीचे न्ही.

सगळयांचे तोंड धांपपाक मेळना.

40.बुधो म्हागेल घोव न्ही, बुध्या बायल हांव न्ही.

कसलेंच तरेचें नातें ना अशें दाखोवप.

41.बोटभर तवश्याक हातभर बी.

नाशिल्ल्या मोठेपणाच्यो बडायो मारप.

**भ**

42.भरील कळसो हालना.

ज्ञानान भरिल्लो मनीस विनम्र आसता.

43.भुके पोटार शेण सुद्धा अमृत जाता.

गरजे वेळार कितेंय चलता.

**म**

44.मनशाक उतर गोरवाक दायें.

उतरांनीच मनीस जाग्यार येता.

45.म्हागेल आळवा खाज म्हाकात खबर.

मनशाक आपल्या मनशांचो सभाव बेस बरो खबर आसता.

46.माकडा हाता माणीक.

योग्य नाशिल्ल्या मनशाक बरें मेळप.

47.मास खायल म्हण हाड गळ्या गुतून फिरचे न्ही.

वायट कर्तुबाचे पुरावे कोण दाखयत फिरना.

48.मोर नाचता म्हण कुडातर नाचता.

दुसरो करता म्हण आपणें करप.

**र**

49.रान्नीत एक खोड, घरात एक बोड.

घरांत एक तरी हुशार मनीस आसताच.

**ल**

50.लग्न जालना तरी लग्ना माटवातल्यान गेला.

सरभोंवतणेंल्यान शिकप वा अणभव मेळोवप.

51.लग्न लागला काणकोणा आनी पत्रावळी मांडला हणकोणा.

कामाक जाय पडपी गजाली/वस्ती दुसऱ्यो भलतेच कडेन दवरप.

**व**

52.व्होकलेल सभाव सयारत कळटा.

लग्नांतूच व्हंकलेची हुशारी समजता.

53.व्होड घराक पोकळ वासो.

भायल्यान चकचकीत दिसपी गजाल भितरल्यान वाट लागिल्ली आसता.

54.वाजता थय नाचता.

फायदो आसा थंय धांवता.

55.वाडील नाका, सांडील जाय.

जें आसा तें कुस्कुटावप आनी ना ताचे फाटल्यान धांवप.

**श**

56.शेंडील मन हजार कडे.

मन अस्वस्थ आसता तेन्ना चड चिंता करप.

**स**

57.सुण्या खंयी मारा ते दावे पायान कुट्टा.

मनशाक कितलेंय समजायल्यार लेगीत ताचो मूळ सभाव बदलना.

**ह**

58.हुडदात काळो गोरो कोण ना.

सगळ्यांक एक समान वागोवप.

59.हुंदीर हागतलो कितलो आनी शेणी थापतलो कितलो?

जोडटलो कितलो मोडटलो कितलो.

60.हेत्त कमरेक हेत्त कापड उरना.

काळा प्रमाणें बदल घडटा

कारवारी बोलयेच्या वाक्यविचाराचो आनीक खोलायेन विचार आनी संशोधन जावं येता पूण वेळाचे मर्यादेक लागून तो करूंक ना. ह्या अभ्यासाच्या फुडल्या प्रकरणांत पुराय अभ्यसाचो निश्कर्श मांडिल्लो आसा.

# प्रकरण 6: समारोप आनी निश्कर्श

## समारोप:

‘कोंकणीची कारवारी बोली: एक भासविज्ञानीक अभ्यास’ ह्या सोद वावराचे मुखेलपणान चार हेतू आसले. पयलो हेतू, कारवारी बोली प्रमाण कोंकणी बोलये परस कशी आनी कितली वेगळी आसा तें जाणून घेवपाचो आसलो. दुसरो हेतू, व्याकरणांत आशिल्लें वेगळेपण समजून तें दाखोवन दिवपाचो आसलो. तिसरो हेतू, स्वनीमविचाराची, पदविचाराची आनी वाक्यविचाराची संकल्पना समजून कारवारी कोंकणीच्या संदर्भांत तांचे वर्णन आनी विश्लेशण करपाचो आसलो आनी चवथो हेतू, कारवारी बोलयेचेर हेर भासांचो कसो आनी कितलो प्रभाव पडला हें अभ्यासपाचो आसलो. हे चारूय हेतू पुराय करपाचो यत्न प्रस्तूत अभ्यासाच्या माध्यमांतल्यान केला. हें करपाक प्रस्तूत अभ्यास 6 प्रकरणांनी विभागला.

पयल्या प्रकरणांत, विशयाची प्रस्तावना, संशोधन प्रस्न, अनुमानीक प्रतिज्ञा, अभ्यासाचीं उद्दिश्टां, अभ्यासाचो आवाठ आनी मर्यादा, साहित्य नियाळ, सोद वावराची पद्दत, प्रबंधिकेची उपयुक्तताय आनी प्रकरणांची मांडावळ दिल्या.

दुसऱ्या प्रकरणांत, ‘कोंकणीची कारवारी बोली-वळख’ ह्या माथाळया खाला कोंकणी भाशे कूळ, कोंकणीच्या बोलयांची उडटी वळख आनी कारवार वाठाराची राजकीय, भुगोलीक आनी इतिहासीक वळख मांडल्या.

तिसऱ्या प्रकरणांत, ‘स्वनीमविचार: वर्णन आनी विश्लेशण’ ह्या माथाळया खाला स्वनीम-विचाराचो अभ्यास कारवारी बोलयेच्या संदर्भांत मांडला. कारवारी बोलयेंत येवपी स्वर आनी व्यंजनाचें वर्णन आनी विश्लेशण केलां. कारवारी बोलयेची प्रमाण कोंकणी बोलये कडेन तुळा करून स्वनीम-विचारांत मेळपी वेगळेपणाचो आनी सारकेपणाचो अभ्यास देखी सयत मांडला.

चवथ्या प्रकरणांत, ‘पदविचार: वर्णन आनी विश्लेशण’ ह्या माथाळया खाला पद-विचाराचो अभ्यास कारवारी बोलयेच्या संदर्भांत मांडला. कारवारी बोलयेची प्रमाण कोंकणी बोलये कडेन तुळा करून पद-विचारांत मेळपी वेगळेपणाचो आनी सारकेपणाचो अभ्यास देखी सयत मांडला.

पांचव्या प्रकरणांत, ‘वाक्यविचार: वर्णन आनी विश्लेशण’ ह्या माथाळया खाला वाक्य-विचाराचो अभ्यास कारवारी बोलयेच्या संदर्भांत मांडला. कारवारी बोलयेची प्रमाण कोंकणी बोलये कडेन तुळा करून वाक्य-विचारांत मेळपी वेगळेपणाचो आनी सारकेपणाचो अभ्यास देखी सयत मांडला तशेंच म्हणींचें संकलन करून तांची अर्थावणी केल्या.

सव्या प्रकरणांत, समारोप करून अभ्यासाचे निश्कर्श मांडल्यात.

**निश्कर्श:**

पुराय अभ्यासाचो निश्कर्श सकयल दिल्ले प्रमाण आसा.

**दुसऱ्या प्रकरणाचे निश्कर्श:**

कोंकणी ही भारतीय आर्य भाशेकुळांतली भास आसा. तिच्यो साबार प्रादेशीक आनी समाजीक बोलयो आसात. तिची प्रत्येक बोली एकामेकां परस वेगळी आसा. जातूंतल्यान कोंकणी भाशेची गिरेस्तकाय जाणवता.

कारवार वाठाराचो आपलो असो खाशेलो इतिहास आसा. वेगवेगळ्या राजवटींनी ताचेर राज्य केल्लें आसा. साबार धर्माचे आनी जातींचे लोक थंय राबितो करून आसात. हेर धर्माचे लोकसंख्ये परस हिंदुंची लोकसंख्या चड आसा. थंयच्या चडशा लोकांची आवयभास कोंकणी आसा. राजकीय आनी भुगोलीक नदरेन लेगीत हो वाठार खूब वेगळो आसा.

**तिसऱ्या प्रकरणाचे निश्कर्श:**

कारवारी बोलयेंत येवपी स्वरांचें वर्णन आनी विश्लेशण केल्या उपरांत अशे निश्कर्श मेळटात:

- कारवारी बोलयेंत ‘ओ’ हें वांटकुळे स्वर, ‘ए’ हें सादे स्वर आनी ‘ए’ आनी ‘ओ’ हे धांकते-उकते स्वर उतराचे शेवटाक येनात जाल्यार ‘ऑ’ हें धांकते-उकते स्वर उतराचे मदीं येना.

कारवारी बोलयेंत येवपी व्यंजनांचें वर्णन आनी विश्लेशण केल्या उपरांत असो निश्कर्श मेळटा:

- कारवारी बोलयेंत 'ष्' हें घांसडें व्यंजन ना. 'छ्' आनी 'झ्' हीं स्पर्श-घर्शी व्यंजनां उतराचे मदीं आनी शेवटाक येनात जाल्यार 'ळ्' हें पार्श्वीक व्यंजन उतराचे सुरवातेक येना. हे सगळे प्रमाण कोंकणी कडेन सारकेंपण दाखयतात.

कारवारी बोलयेंतल्या अनुस्वाराचो अभ्यास केल्या उपरांत जे फरक स्पश्टपणान जाणवता ते अशे आसात:

- कारवारी बोलयेंत अनुस्वाराचो खूब कमी प्रमाणांत वापर जाल्लो दिश्टी पडटा. कारवारी बोलयेंत अनुनासीक उतरां चड प्रमाणांत घोळनात.
- प्रमाण कोंकणींत मोन्या 'अ' स्वरान सोंपपी अलिंगी एकवचनी नाम भोववचनांत 'आं' स्वरान सोंपतात पूण कारवारी बोलयेंत मोन्या 'अ' स्वरान सोंपपी अलिंगी एकवचनी नाम भोववचनांत 'आ' स्वरान सोंपतात.
- कारवारी बोलयेंत सकर्मक क्रियापद आशिल्ल्या वाक्यांत कर्म जरी अलिंगी नामाचें आसत जाल्यार लेगीत ताका अन्वय जावपी क्रियापदाचेर अनुस्वार येना.

- प्रमाण कोंकणी बोलयेंतलीं सर्वनामां जीं मुळांतच अनुनासीक आसात तीं कारवारी बोलयेंत अनुस्वारा बगर घोळटात.

कारवारी बोलयेंतल्या अल्पप्राण आनी म्हाप्राणाचो अभ्यास केल्या उपरांत असो निश्कर्श मेळटा:

- प्रमाण कोंकणींत जीं उतरां म्हाप्राणांत सोंपतात तीं उतरां कारवारी बोलयेंत अल्पप्राणांत सोंपतात.

कारवारी बोलयेची प्रमाण कोंकणी बोलये कडेन तुळा केल्या उपरांत असो निश्कर्श मेळटा, स्वनीम-विचारांत साम्य चड प्रमाणांत आसात.

**चवथ्या प्रकणाचे निश्कर्श :**

कारवारी बोलयेंत प्रमाणाचेच स्वर आनी व्यंजनां आसात पूण उतरांत आनी संयोजनांत फरक आसा. कारवारी बोलयेंत अशीं कांय उतरां आसात जातूंत निमणो स्वर आनी व्यंजन गळटा. हाचें फाटलें एक कारण म्हणल्यार कारवारकारांची वेगान उलोवपाची शैली आसूं येता.

कारवारी बोलयेंतल्या सर्वनामाचो अभ्यास केल्या उपरांत असो निश्कर्श मेळटा:

- पुरूशलिंगी, स्त्रीलिंगी आनी अलिंगी पुरूश सर्वनामांनी, प्रमाण कोंकणींतलें 'तूं' हें दुसरो पुरुशी एकवचनी सर्वनाम कारवारी बोलयेंत 'तू' अशें घोळटा. कारवारी बोलयेंतल्या ह्या दुसरो पुरुशी एकवचनी सर्वनामाचेर अनुस्वार येना.
- स्त्रीलिंगी पुरूश सर्वनामांनी, प्रमाण कोंकणींतलें 'त्यो' हें तिसरो पुरुशी भोववचनी पुरूश सर्वनाम कारवारी बोलयेंत 'ते' अशें घोळटना मेळटा.
- अलिंगी पुरूश सर्वनामांनी, प्रमाण कोंकणींतलें 'तें' हें तिसरो पुरुशी एकवचनी पुरूश सर्वनाम कारवारी बोलयेंत 'ते' अशें घोळटा. तेच भशेन प्रमाण कोंकणींतलें 'तीं' हें तिसरो पुरुशी भोववचनी पुरूश सर्वनाम कारवारी बोलयेंत 'ते' अशें घोळटना मेळटा.
- प्रमाण कोंकणींतलीं 'ह्यो' आनी 'त्यो' हीं स्त्रीलिंगी भोववचनी दर्शक सर्वनामां कारवारी बोलयेंत 'हे' आनी 'ते' अशीं घोळटात. प्रमाण कोंकणींतलीं 'हें' आनी 'तें' हीं अलिंगी एकवचनी दर्शक सर्वनामां कारवारी बोलयेंत 'हे' आनी 'ते' अशीं घोळटात. कारवारी कोंकणींतल्या अलिंगी एकवचनी दर्शक सर्वनामांचेर अनुस्वार येना. तेच भशेन प्रमाण कोंकणींतलीं 'हीं' आनी 'तीं' हीं अलिंगी भोववचनी दर्शक सर्वनामां कारवारी बोलयेंत 'हे' आनी 'ते' अशीं घोळटात.
- प्रमाण कोंकणींतलें 'ज्यो' हें स्त्रीलिंगी भोववचनी संबंदी सर्वनाम कारवारी बोलयेंत 'जे' अशें घोळटा. प्रमाण कोंकणींतलें 'जें' हें अलिंगी एकवचनी संबंदी सर्वनाम कारवारी

बोलयेंत 'जे' अशें घोळटा. कारवारी कोंकणींतल्या अलिंगी एकवचनी संबंदी सर्वनामाचेर अनुस्वार येना. तेच भशेन प्रमाण कोंकणींतलें 'जीं' हें अलिंगी भोववचनी संबंदी सर्वनाम कारवारी बोलयेंत 'जे' अशें घोळटा.

- प्रमाण कोंकणींतलें 'कितें' हें प्रस्नार्थी सर्वनाम कारवारी कोंकणींत 'कीत' अशें घोळटा जंय 'एं' हें स्वर गळ्ळां.
- प्रमाण कोंकणी आनी कारवारी कोंकणीच्या सर्वनामांक लागपीं कुसां मदीं खूब वेगळेंपण आसा. प्रमाण कोंकणींत 'चे' वा 'जे' कुसान सोंपपी सर्वनामां कारवारी बोलयेंत 'गेल' ह्या कुसान सोंपतात.
- प्रमाण कोंकणींत 'आ' स्वरान सुरू जावपी सर्वनाम जेन्ना कारवारी कोंकणींत येतात तेन्ना 'आ' स्वर 'ए' स्वरान बदलता आनी शेवटाक 'चे' वाट्याचें 'गेल'हें कूस लागता.
- प्रमाण कोंकणींत 'आं' स्वरान सुरू जावपी सर्वनाम जेन्ना कारवारी कोंकणींत येता तेन्ना तातूंतलो 'आ' स्वर 'ए' स्वरान बदलता आनी अनुस्वार जो 'न' ह्या व्यंजना खातीर आशिल्लो तो 'म' ह्या व्यंजनात बदलता आनी शेवटाक 'चे' वाट्याचें 'गेल' हें कूस लागता.

कारवारी बोलयेंतल्या कृंदत लागून सोंपपी क्रियापदांचो अभ्यास केल्या उपरांत असो निश्कर्श मेळटा:

- प्रमाण कोंकणींत 'ऊन' हें कृदंतान सोंपपी क्रियापदां जेन्ना कारवारी बोलयेंत येतात तेन्ना तातूंतलो 'ऊ' स्वर गळटा आनी 'न्' हें व्यंजन निमण्या 'न' अक्षराक लागता.

कारवारी बोलयेंतल्या वचनाचो अभ्यास केल्या उपरांत असो निश्कर्श मेळटा:

- कारवारी बोलयेंत मोन्या 'अ' स्वरान सोंपपी पुरूशलिंगी नामांत जर धांपिल्लो 'ए' वा 'ओ' स्वर आसा जाल्यार ताचो उच्चार भोववचनांत उक्तो जायना.
- कारवारी बोलयेंत 'ई' स्वरान सोंपपी दोन वा दोना परस चड अक्षरी स्त्रीलिंगी नामाचें भोववचन घडटना कसलोच बदल जायना.
- कारवारी बोलयेंत 'अय', 'अंय', 'आय', आंय, 'ऊय', 'ऊंय', 'ओय', 'ओंय' सारक्या संधीस्वरांनी सोंपपी कांय स्त्रीलिंगी नामाचें भोववचन घडटना कसलोच बदल जायना.

प्रमाण कोंकणींत 'वि' अक्षरान सुरू जावपी नामां वा क्रियापदां जेन्ना कारवारी कोंकणींत येतात तेन्ना तातूंतलें 'व' गळटां आनी तीं नामां वा क्रियापदां 'इ' स्वरान सुरू जातात.

कारवारी बोलयेंत एका परस चड अर्थ आशिल्लीं उतरां घोळटात.

कारवार वाठाराचेर वेगवेगळ्या राजवटींनी राज्य केल्ल्यान कारवारी बोलयेचेर कन्नड, मराठी, फारसी-अरबी तशेंच पुर्तुगेज भाशेचो प्रभाव दिसता.

कारवारी बोलयेची प्रमाण कोंकणी बोलये कडेन तुळा केल्या उपरांत असो निश्कर्श  मेळटा, पद-विचारांत  वेगळेपणां चड प्रमाणांत आसात.

**पांचव्या प्रकणांचे निश्कर्श:**

रचणुकेचे नदरेन वाक्यांच्यो जातीं अभ्यासल्या उपरांत असो निश्कर्श मेळटा:

- कारवारी बोलयेंत रचणुकेचे नदरेन वाक्यांच्यो ज्यो जाती आसात देखीक: सादीं वाक्यां, संयोजक जोड वाक्यां, विरोधदर्शी जोड वाक्यां आनी मिश्र वाक्यां प्रमाण कोंकणी बोलयेंत तशेंच कारवारी बोलयेंत एकसारकींच आसात. फकत वाक्यांतल्या कांय उतरांचो बोली भेद आनी उच्चारपाची शैली वेगळी आसा.
- कारवारी बोलयेंतल्या पर्यायदर्शी जोड वाक्यांनी प्रमाण कोंकणींत येवपी ‘वा’ हें पर्यायदर्शी जोड अव्यय वापरिल्लें मेळना. कारवारी बोलयेंत ‘नाजाल्यार’ वा ‘नातर’ हीं पर्यायदर्शी जोड अव्ययां वापरिल्लीं मेळटात.
- कारवारी बोलयेंतल्या परिणामदर्शी जोड वाक्यांनी प्रमाण कोंकणी बोलयेंत येवपी ‘देखून’ हें परिणामदर्शी जोड अव्यय वापरिल्लें मेळना पूण ताचें बदला ‘म्हण’ हें परिणामदर्शी जोड अव्यय वापरिल्लें मेळटा.

अर्थाचे नदरेन वाक्यांच्यो जातीं अभ्यासल्या उपरांत असो निश्कर्श मेळटा:

- कारवारी बोलयेंत अर्थाचे नदरेन वाक्यांच्यो ज्यो जाती आसात देखीक: विधानार्थी वाक्यां, आज्ञार्थी वाक्यां, उमाळीं वाक्यां आनी प्रस्नार्थी वाक्यां प्रमाण कोंकणी बोलयेंत तशेंच कारवारी बोलयेंत एकसारकींच आसात. फकत वाक्यांतल्या कांय उतरांचो बोली भेद आनी उच्चारपाची शैली वेगळी आसा.

कारवारी म्हणींचें संकलन आनी अर्थावणी केल्या उपरांत असो निश्कर्श मेळटा, कारवारी बोलयेंत भरपूर म्हणी घोळटात. कांय कारवारच्यो आनी गोंयच्यो म्हणी एकामेकां कडेन लागीं आसात.

कारवारी बोलयेची प्रमाण कोंकणी बोलये कडेन तुळा केल्या उपरांत असो निश्कर्श मेळटा, वाक्यविचारांत साम्य चड प्रमाणांत आसात.

कारवारी बोलयेच्या स्वनीमविचार, पदविचार आनी वाक्यविचाराचेर आनीक खोलायेन विचार आनी संशोधन करपाची गरज आसा.

# संदर्भ

## कोंकणी:

1. गांवकार, भालचंद्र. *कोंकणी भाशाविज्ञान*. मित्र प्रकाशन, फोंडें-गोंय, 1993.
2. चोपडेकार, हनुमंत. *समाजभासविज्ञान: भाशीक अध्ययनाचें आर्विल्लें शास्त्र*. गोवा कोंकणी अकादेमी, गोंय, 2020.
3. बोरकार, सुरेश. *कोंकणी व्याकरण*. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव, गोंय. 2012.
4. भावे, भूषण. संपा. आनी हेर. *कोंकणी शुद्धलेखनाचे नेम*. पणजी, गोंय, गोवा कोंकणी अकादेमी , 2015.
5. नाडकर्णी, आनंद. *कारवार*. अणकारपी उषा राणे, कोंकणी सांस्कृतीक मंडळ, सदाशिवगड, कारवार. 2016.
6. वाज, डॅनीस. *साश्टी क्रिस्तांवांची बोली: सुदीर-गावडा मोडयांच्या संदर्भांत भाशाशास्त्रीय अभ्यास*. गोंय विद्यापीठ, ताळगांव, 2018.
7. वेरेंकार, श्याम, आनी हेर. *कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय*. कोंकणी भाशा मंडळ, मडगांव, गोंय. 2003.
8. सरदेसाय, माधवी. *भासाभास*. जाग प्रकाशन, गोंय, 1993.

**मराठी:**

9. भट, विठ्ठलराय, राजेश (किरण) दिवेकर, *निसर्गाचं नयनरम्य लेणं कारवार*. मुक्तांगण प्रकाशन, पुणे,महाराष्ट्र. 2013.

**हिन्दी:**

10. तिवारी, भोलानाथ. *भाषाविज्ञान*. किताब महल, (1951) 1991.
11. सिंह, तिलक. *नविन भाषाविज्ञान*. नई दिल्ली: प्रकाशन संस्थान, 1985.

**इंग्लीश:**

12. Aronoff, Mark, Kirsten Fudeman. “What is Morphology”. *Thinking about Morphology and Morphological Analysis*. Blackwell Publishing.
13. Bjerva, Johannes, Isabelle Augenstein. *From Phonology to Syntax: Unsupervised Linguistic Typology at Different Levels with Language Embeddings*. Department of Computer Science, University of Copenhagen, Denmark, 2018.
14. Census of India. Office of the Registrar General & Census Commissioner, India. 2011.

15. Carnie, Andrew, et al. *The Routledge Handbook of Syntax*. Routledge 2 Park Square, Milton Park, Abingdon, Oxon OX14 4RN and Routledge 711 Third Avenue, New York, NY 10017, 2014.

16. Chomsky, Noam. *Aspects of Theory of Syntax*. The M.I.T. Press, Massachusetts Institute of Technology, Cambridge, Massachusetts.

17. Chomsky, Noam. "Logical Syntax and Semantics: Their Linguistic Relevance." *Language,* Vol. 31. No. 1, Jan-Mar, 1995.

18. Devy, G.N, et al. *People's Linguistic Survey of India, Volume Eight, Part II, The Languages of Goa.* Orient Blackswan Private Limited, Telangana, India, 2019.

19. Forsberg, Markus, Aarne Ranta, *Functional Morphology*, Department of Computing Science, Chalmers University of Technology and the University of Gothenburg

20. Ghatage, A.M. *A Survey of Marathi Dialects I: Konkani of South Kanara.* The State Board of Literature and Culture, Bombay,1963.

21. Ghatage, A.M. *A Survey of Marathi Dialects II: Kudali* . The State Board of Literature and Culture, Bombay,1965.

22. Ghatage, A.M. *A Survey of Marathi Dialects V: Konkani of Kankon.* The State Board of Literature and Culture, Bombay,1968.

23. Halle, Morris. *An Approach to Morphology*. Massachusetts Institute of Technology, 1990.

24. Katre, S. M., *The Formation of Konkani.* Deccan College, Pune,1966.

25. Kolanchery, George. *Analytical Components of Morphology in Linguistics*. Global English-Oriented Research Journal, Vol.1, June 2015.

26. Lieber, Rochelle. *Introducing Morphology*. Cambridge University Press, New York, 2009.

27. Merriam-Webster Unabridged Dictionary.

28. Mopkar, Govind. *A Grammatical Outline of the Sattari Variety of Konkani spoken in Goa*. Department of Linguistics, Deccan College, Post-graduate & Research Institute, Pune, July, 2021.

29. Robert, Noel Burton. *Analysing Sentences: An introduction to English Syntax.* fourth edition, Routledge Taylor & Francis Group, London & New York. 2016

30. Sardesai, Madhavi. *A Comparative Linguistic and Cultural Study of the Lexical Influences on Konkani*. Goa University, Goa. 2006.

31. Siegel, Dorothy. *Topics in English Morphology*. Massachusetts Institute of Technology, September, 1974.

32. Wiese R, "Phonology Overview" *Encyclopaedia of Language & Linguistic.* Second Edition, Volume 9, Elsevier Ltd. 2006.

**ऑनलायन संदर्भावळ:**

1. **https://www.merriam-webster.com/dictionary/phonology**
2. **https://www.merriam-webster.com/dictionary/morphology**
3. **https://en.m.wikipedia.org/wiki/Karwar**
4. **https://www.censusindia.co.in/amp/towns/karwar-population-uttara-kannada-karnataka-803090**

**मुलाखत:**

1. कोमल काशेकर, बाड, कारवार-कर्नाटका, 3 मार्च 2024.
2. गजानन माजाळीकार, बोरे-कद्रा, कारवार-कर्नाटका, 29 डिसेंबर 2023.

3. दिव्या कापडसकर, बाड, कारवार-कर्नाटक, 3 मार्च 2024.

4. मनोहर बाडकर, बोरे-कद्रा, कारवार-कर्नाटका, 29 डिसेंबर 2023.

5. वत्सला माजाळीकार, बोरे-कद्रा, कारवार-कर्नाटका, 15 डिसेंबर 2023.

6. वंदना माजाळीकार, राय, साश्ट-गोंय, 10 मार्च 2024.

7. विजय माजाळीकार, बोरे-कद्रा, कारवार-कर्नाटका, 15 डिसेंबर 2023.

8. विनोद माजाळीकार, राय, साश्ट-गोंय, 6 जानेवारी 2024.

9. वैशाली सैलकर, राय, साश्ट-गोंय, 10 मार्च 2024.

10. संदेश बांदेकर, सदाशिवगड, कारवार-कर्नाटका, 30 डिसेंबर 2023.